# कोंकणीची उतरावळ

## तिजी

## जोडणूक आनी घडणूक

कोंकणी भाशा मंडळ
कोंकणी भवन
शंकर [illegible] मार्ग, विद्यानगर
मडगांव – गोंय ४०३ ६०१
फोन ७३२३३१

बाकिबाब बोरकार

229

4695
R

कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव

1330

कोंकणी भाषा मंडळ
मडगांव, गोंय



बाकिबाब बोरकार

491.4695
BOR/Kon

शणै गोंयबाब हांच्या उगडासाक कोंकणी भाशा मंडळान सुरू केल्ले 'वालावलीकार व्याख्यानमाळें'त ता. ८ एप्रिल १९७३ दिसा दिल्लें पयलें व्याख्यान.

उतरांकडेन खेळप ही म्हजी भुरगेपणसावनची वज. म्हाका घट याद आसा, म्हजो आजो कुडचडच्यान म्हगेले आवैक कुळारा व्हरूंक आयिल्लो. तिज्या वांगडा हांवय कुडचड्यां वतलों म्हणून सूंः कसो हांव आजयेच्या फाटीक लागलों. तिजो म्हजेर जीव आशिल्लो आनी एक खिण लेगीत हांव तिज्या दोळयांआड जालों जाल्यार ती सामकी सकेल वैर जाताली. हांव हटाकच्च पेटलां अशें पळौन तिणें म्हळें— ‘ किल्याक ? थंय वचून नांवरूप करूंक ? ’ ‘नांवरूप’ हें जोडगिरें उतर अशें पैलें वेळें म्हज्या कानार पडलें आनी किल्याक कोण जाणां, म्हाका तें भौच मानवलें. म्हाका ताजो असो कितें छंद लागलो कीं ‘ कुडचड्यार वचून एक नांवरूप करूंक जाय ’ ही वळ कितलो तरी वेळ हांव ताळांत घोळौंक लागलों. जाण्ट्यांनीं म्हजो हो चरण आयकलो तेन्नां ताणीं म्हजीं जायतीं फकाणां केलीं ! हांव तेन्ना दोन ते अडैच वर्सांचो जायन. उतरांकडेन खेळपाची तेन्ना म्हाका जी गोडी लागली ती फुडें फुडें चटच्च जावन बसली. भुरगीं झुमरांचीं भिंगां पुंजावन तीं ओतांत धुंवडायत बसतात आनी तांतल्यान सांडिल्लीं तरेकतरा रंगांचीं आवर्तनां पळेताना तानभूक विसरतात तसो हांव कानार पडिल्लें जणेक नवें उतर मतींतल्या उजवाडांत खेळौंक लागलों आनी तांच्या तासांतल्यान अर्थाचे जे रंग शिंवरतात तांका ओखेतोखेवंक लागलों. एकच उतर वाक्यांत मात्शें फुडें वा फाटीं जातकच ताज्या सोब्रितकायेंत आनी भावकळेंत केदो पालट जाता हें ल्हव ल्हव म्हाका उमगत गेलें. वांगडच्या उतरांक लागून त्याच उतराक एक नवोच अर्थ कसो मेळटा ताजोय सुल्लूस म्हाका लागत गेलो. आनी उतरांत केदी जादू आसा आनी ताजी तांक केदी आसा हाजो अदमास म्हाका येत गेलो. फुडें फुडें उतर कशें घट्ट, कशें मोट्टा आनी कशें वाट्टा हाजेकडेन म्हजें चित्त भौन भौन वचूंक लागलें. फुडें ज्ञानेश्वरींत वाचलें, ‘ सूर्यबिंब जरी बचकेचि एवढें । तरि प्रकाशा त्रिभुवन थोकडें । शब्दाची व्याप्ती तेणें पाडें । अनुभवावी.’ म्हळ्यार ‘सूर्यबिंब जरी बचकाएदें दिसलें तरी ताज्या उजवाडाच्या आस्पावांत त्रिभुवन लेगीत ल्हान जाता. उतराचो आस्पावय तसोच. तो सोंपलो म्हणून ना. अणभविल्ल्यानच तो कळपाचो.’ अणभवान म्हाका जें पटिल्लें ताका हो असो ज्ञानेश्वराच्या उतरांचो तेंको मेळ्ळो. उपरांत तुकारामाली गाथा वाचली. तिज्यांतल्या एका अभंगांत तो म्हण्टा, ‘ आम्हां घरीं धन शब्दांचींच रत्नें । शब्दांचींच यत्नें शस्त्रें करूं. ’ म्हळ्यार ‘आमगेल्या घरचें धन म्हळ्यार उतरांचीं रत्नां. मनार घेतल्यार यत्नान तांचींच आमी शस्त्रां करूं.’ तुकाराम आपल्या उतरांक जाय तेन्ना रत्नांची आनी जाय तेन्नां शस्त्रांची कळा कशी हाट्टा हाजो पडताळो घेतलो आनी ताका लागून उतरांचें हें दोंय भासांचें बळगें म्हाका होलमलें. फाटलीं साठ वर्सां कानार पडिल्ल्या

आनी दोळ्यांक दिशिल्ल्या जगेक उतराचें रूप हांव ओखेत आयलां आनी ताजें बळगें अजमायत आयलां. पुण हें सगळें हांवें केलें तें कवि म्हणून. वाकशास्त्राचो विश म्हणून न्हय. ते नदरेन कोगेय पुण उतरांचे खरीक हात घालूंकच जाय अशें मात हालींच्या काळाक म्हाका चड चड दिसूंक लागलें.

कोंकणी भाशा मंडळाच्या यजमान्न्यान म्हजेकडेन जेन्ना ह्या कोंकणी दिसाचो प्रस्ताव काडलो तेन्ना शणै गोंयबाबाचो दीस अशे भशेन मनवप ही कल्पना म्हाका खूबच मानवली. पुण हावें तांकां शिटकायलें कीं वामनबाबांची केवळ तुस्त गावन आमी "भटो भटो आपल्यो वाटो" अशें करूंक फावना. तर ह्या दिसाच्या निमतान तांचीं अर्धार उरिल्लीं कामां आपणाले प्रतिभेन आनी अभ्यासान फुडें व्हरूंक जाय. कोंकणीचें ध्वनिशास्त्र, कोंकणीचें व्याकरण, कोंकणीचें भाशाशास्त्र, गोंयचो इतिहास, गोंयच्या म्हापुरसांच्यो जिणो बी ज्या विशयांक आपणाले प्रतिभेन आनी सोदघेणे बुद्दीन ताणीं पालव लायले ते विशय अशा प्रसंगार आमी सभराभरांत करून दाखौंक जाय. म्हजीं ही शिटकावणी म्हणात सुचौणी म्हणात ताणीं रोखडीच जिखून घल्ली आनी वालावलकार व्याख्यानमाळेंत पैलीं दोन फुलां गुंथपाचें म्हज्याच गळ्याक घालें. वाडोळ गावडेक लग्न कियाक करिना अशें विचारूंक गेल्ल्या भोळंभटाभशेन म्हजी गत्त जाली. तांचें उतर म्हज्यान मोडुं नज जालें आनी हांव तांकां उतर दिवन चुकलों. आनी तेन्नाच हावें थारायलें का कोंकणी उतरावळ कशी घट्टा वाट्टा ह्याच विशयाचो ह्या भाशणांनी परामर्स घेवचो. शणै गोंयबाबाली "व्याकरणी बांदावळ" आनी डॉ. कत्रेंचें The Formation of Konkani हीं दोन मोलादिक पुस्तकां हांवें पैलीं वाचिल्लींच. तीं शास्त्रीक नदरेन परतीं एक फावट वाचलीं आनी तरजिलीं. तांतूंत कांय उतरांच्या घडणेची विस्कणी येवन गेल्या. पुण तो ह्या पुस्तकांचो मुखेल विशय न्हय. म्हणुन ह्या विशयाचो आस्पाव आनी खोलाय हांचो अदमास घेवंक हांवें पाणिनीची अष्टाध्यायी, पतंजलीचें महाभाष्य, पाली, प्राकृत आनी अपभ्रंश ह्या भासांचीं व्याकरणां, संस्कृत कोश, भट्टोजी दीक्षिताची सिद्धांतकौमुदी आनी भर्तृहरीची वाक्यपदीय अशे कांय तोलामोलाचे ग्रंथ चाळ्ळे तेळ्ळे आनी ह्या विशयाचो आस्पाव, खोलाय आनी बारकायो पळेतकच ताका सगळी हयात दिल्यारय थोडी हें म्हज्या लक्षांत आयलें. खिणभर दिसलें, खेंचो हो सूळ हांवें खांदार घेतलो. पुण म्हळें, ह्या सगळ्याचो शास्त्रशुद्ध अभ्यास करून ताजेवैलो तोलादीक ग्रंथ केन्ना जातलो तेन्ना जावं आज होलमलां ताजो कच्चो खड्डो जरी ह्या म्हुर्तार तुमचे सामखार दवल्लो तरी शणै गोंयबाबांक स्रद्धांजली दिल्यावरी जातली.

ह्या विनम्र मनोदयाचें फळीत तुमच्यामुखार मांडताना हांव जशें निकत्याच निंदेसिल्ल्या पूर्वसूरींचें रीण मानतां तशेंच जिका लागून कोंकणीची अप्रूप आनी नखसूद



उतरावळ म्हाका भुरगेपणांतच आयकूंक मेळ्ळी ते म्हजे आजयेचें पुण्यस्मरण करतां.

## उतर वा शब्द

उतरावळीची उस्तणी विस्कणी करचेपैलीं 'उतर' ह्या उतराचें रूप कितें आनी स्वरूप कितें हें आमी समजून घेतिल्लें बरें. उतर म्हळ्यार वर्णांचो पुंजुलो. पुण केन्ना केन्ना एका वर्णाचे पासून उतर जाता. हावें उलो माल्लो, आनी तुमी 'ओ' म्हळें जाल्यार 'ओ' हो एक वर्ण आसूनय तें उतर जालें. तुमी येतले? अशें हांवें विचाल्लें आनी तुमी 'ना' म्हळें जाल्यार 'ना' हेंय अशेंच दुवर्णी उतर जालें. 'ओ' हें उतर केवळ एका स्वराचें तर 'ना' हें न् हें व्यंजन आनी आ हो स्वर ह्या दोन वर्णांनीं घडिल्लें. उतर हें अशें एका, दोन वा अदिक वर्णांनीं घडिल्लें आसता. ज्याका सांगचेलें आसा तो उतरांनीं उलैता आनी ज्याका आयकुचेलें आसा तो तीं आयकून ताका सांगचेलें आशिल्लें तें तत्काळ समजता. तोंडांतल्यान जें ध्वनि रूपान फुट्टा आनी कानांक जें ध्वनिरूपान आयकूंक येता तें उतराचें रूप. पणून त्या उतराच्या रूपाक लागून उलैतल्याच्या मनोगताचो आयकतल्याक अंतर्यामीं जो प्रत्यय येता तें त्या उतराचें स्वरूप. वात आनी जोत अशें उतराच्या रूपा-स्वरूपाचें नातें. वाती बगर जोत ना पुण वात म्हळ्यार जोत न्हय. जोतीक आकार तरी आसा. उजवाडाक तोय ना. म्हणूनच भर्तृहरीन उतराक वा शब्दाक ब्रह्म म्हळां. ब्रह्म म्हळ्यार बृंहणशीळ -सदांच पातळत आसता तें. ताका ताणें अनादि निधन म्हणूनय गौरायलां. अनादि निधन म्हळ्यार ज्याका आदीय ना आनी अंतय ना अशें. उतर हाजे दोन अर्थ आसात. एक अर्थ शब्द आनी दुसरो अर्थ वचन किंवा वाक्य. हांवें ताका उतर दिलें अशें जेन्ना हांव म्हण्टां तेन्ना ताजो अर्थ हांवें ताका वचन दिलें. म्हणून वचनाचो आशय सांगपी उतरांचो समुदाय म्हळ्यारय उतर आनी शब्द म्हळ्यारय उतर. हें उतर किंवा वाक्य सांगतल्याच्या तोंडसून ध्वनिरूपांत प्रगट जायसर परा, पश्यंति, मध्यमा आनी वैखरी अशो चार वाणी तें गांठा. उलैतल्याच्या अंतर्यामीं जेन्ना कितेंय सांगपाची वान्सा जाता त्या अवस्तेंत तें परावाणींत आसता, बुद्द आनी मन हांची जेन्ना ताका चाळण लागता तेन्ना तें पश्यंतींत आसता. तांका ध्वनिरूप दिवंक वाचेचीं इंद्रियां जेन्ना वावरूंक लागतात तेन्ना तें मध्यमेंत येता आनी प्रत्यक्ष ध्वनिरूपांत प्रगट जाता तेन्ना तें वैखरींत येता अशी उतराची वा वाक्याची प्रक्रिया ताणें सांगल्या. आयकतलो आसता तो वैखरींतल्यान उरफाट्या क्रमान परेपर्यन्त पावता आनी अशे रितीन उलैतल्याचें मनोगत वळखता. ब्रह्मतत्व जशें तरेक तरांचीं नव नवीं रूपां घेवन पसून मुदलच्या स्वरूपांत विचल जायना तर आपल्या केंद्रांत थीर आसता तशेंच शब्द तत्वय बी अशी निरुक्ताचार्य यास्काची म्हणणी. म्हणून ताणें ताका नित्यः अशें म्हळां. पतंजलि तर

'महान् देव' अशी ताजी नामना गायता आनी म्हण्टा, प्रतीत पदार्थकाहि ध्वनिः लोके शब्दः म्हळ्यार ताका लागूनच खैंच्याय पदार्थाचो वा अर्थाचो लोकांक प्रत्यय मेळटा. शब्दाचें म्हत्व पतंजलीन इतलें बरें वळखिलां कीं तें सांगताना तो म्हण्टा, एकः शब्दः सम्यग्ज्ञातः संप्रयुक्तः स्वर्गेलोके कामधुग्भवति, म्हळ्यार एक जरी उतर सगळ्यां तासांनीं वळखूंक आयलें आनी मुदयेर थीक कशें वापरूंक आयलें जाल्यार सर्ग लोकांत पाविल्ल्याचो आनंद जाता. शब्दाची वा उतराची ही अशी म्हैमा.

ह्या उतराची जी गर्भकणी आसता तिज्यांतल्यांन तरेकतरा उतरां किल्लतात, केन्ना अर्थान पुष्ट जातात, केन्ना कालगतीन पोळ जातात, केन्ना नव्या अर्थान परतीं धड जातात तर केन्ना एकामेकांकडेन सोरगत इष्टागत करून मनोभावाची एक आगळीच सृष्ट उबी करतात. उतराचें हें बीजतत्व जशें प्रतिभावंतांत आसता तशेंच तें लोकमानसांतय आसता. भास वाड्टा ती तांच्या दोगांमदल्या विनिमयान. लोकपरंपरेंतल्यान आयिल्ल्या उतराचें रुशींच्यान पसून उल्लंघन करूं नज, हें रुशींनीच म्हणून दवल्लां. म्हणून प्रतिभावंतांच्या तोंडसून आयिल्ल्या उतरां इतलींच लोकामुखांत घोळपी उतरांय मोलाम्हत्वाचीं. तांचो दोगांचोय अभ्यास अगत्याचो.

चतुर्विध वार्णींतल्यान जें उतर प्रगट जाता ताजो उगम मनशाटांयच्या एके दिव्य शक्तीक लागून जाता असो निर्वाळो जसो कवींनीं दिला तसो रुशींनीय दिला. जनावरांय प्राणी आनी मनीसय प्राणी. तांकां वेगळावपी नाट म्हळ्यार उतर. जनावरांक आवाज काड्डूंक येतात पुण उतर उलौंक येना. देखूनच मोन जात म्हळ्यार मोनी जात ह्या नांवान आमी तांकां वळखतात. मनीस मनीस जावंक पावलो तो मनन करूंक आयिल्ल्यान. उतरांबगर मनन जावं नज. आनी मनना बगर मनीस जावं नज. मनशाचें मन, मत, अस्मिताय, संस्कृताय म्हळ्यार ताजें मनीसपण–उतराक लागूनच घडलां. अशा ह्या उतराचो थाव घेतल्यार ताज्या ठांयचें मनीसपण फुलता पोसवता. देखूनच तो थाव घेवपाचो येत्न समाजांत सतत जायत उरूंक जाय.

उतरांचे उस्तणे–विस्कणेक हात घालचे पैलीं जे वर्णावळीक लागून उतरां घड्टात तिचें स्वरूप समजून घेवंक जाय. जणेक भाशेक आपापली वर्णावळ आसता. गळ्यांतल्यान येवं येतात अशे सगळेच वर्ण कितें प्रत्येक भास वापरना. आपल्या सभावाक मानतीत आनी आंगाक चप्प बसतीत अशेच वर्ण ती घेता आनी हेर सोड्डून दिता. अशे तिणें पत्करिल्ले वर्णावळींतल्यान तिजी अस्मिताय वळखूंक येता. म्हणून कोंकणी वर्णावळीची बांदावळ कशी घडल्या तें आमी पैलीं समजून घेवं या.

खैंच्याय वर्णावळीचीं आंगा दोनः स्वर आनी व्यंजनां. आमी जी अआ शिकतात ती स्वरावळ संस्कृताची. तांतले ऋ, ऌ हे स्वर आनी अः हो विसर्ग



कोकणींत नात. हेर सगळे आसात. त्या भायर पालींतले ॲ आनी ऑ हे दोन स्वर तिणें घेतल्यात आनी संस्कृत स्वरावळींतल्या एका अनुदात्त अ च्या जाग्यार अनुदात्त, उदात्त आनी स्वरित अशे तीन अ घेतल्यात. कोकणी स्वरावळीचो बारकायेन अभ्यास केल्या उपरान्त म्हजो निर्णय कीं केवळ हेळ्यांक लागून एका अ स्वराचीं हीं तीन रूपां जावंक नात. तर हे तीन स्वतंत्र स्वर. पणस हें उतर घेतलें जाल्यार तांतलो प तलो अ हो अनुदात्त वा धांकिल्लो. पुण तांतल्या ण मदलो अ स्वरित. म्हळ्यार धड धाकिल्लोय न्हय आनी धड उकतोय न्हय. पुण पणस अशें जर म्हळें जाल्यार ह्या णतलो अ उकतो. वड आनी वड, बस आनी बस, चड, चड आनी चड हीं उतरां तार्जिलीं जाल्यार ह्या वेगळ्या वेगळ्या तीन अ-क लागून उतरांचे अर्थ कशे बदलतात हें तुमच्या लक्षांत येतलें. मोर म्हळ्यार एक मोर. मॉर म्हळ्यार अनेक. मोडलें म्हळ्यार कोणेय पुण मोडलें. मॉडलें म्हळ्यार आपशींच मॉडलें. पेर म्हळ्यार पेरांचें झाड. पॅर म्हळ्यार पेराचें फळ. बेत म्हळ्यार संकल्प आनी बॅत म्हळ्यार एका जिनसाची बडी. देखून ऑ आनी ॲ हे स्वर जशे ओ आनी ए हांचेपरस निराळे. तशेच अ आनी ॲ हे अचेहुन निराळे. हांचे जोडीक आनीक एक नाखयो स्वर कोकणींत जायतो घोळटा. तो म्हळ्यार ॲं. देखीक चंवर. संवकळ, पालंव, सांकव, कांसव बी उतरांत येता तो. त्या भायर कोंकणी स्वरावळींत आ, ॲ आनी ऑ हे स्वर, फाटल्यान लांबोडे स्वर आयल्यार मोटवे जातात. देखीक : आतां, येदें, कोलो हातूंत आतांतलो आ, येद्यांतलो ये आनी कोल्यांतलो को हातूंत आयिल्ले स्वर मोटवे म्हळ्यार एके मात्रेचे जातात.

कोकणीची व्यंजनावळ पळेल्यार ती मराठीच्या व्यंजनावळीपरस वेगळी न्हय. आडवाद इतलोच कीं कोंकणी व्यंजनावळींत पोटफोडो ष येना.

कोकणी वर्णावळीची ही वेवस्ता लक्षांत घेतल्या उपरान्त कोकणीची उतरावळ आतां तपासून पळौं या. कोंकणी ही मुदलांत ब्रह्मावर्तांतल्या लोकांच्या वैदीक बोलींतल्यान उपजल्ल्यान तिज्यांत चड भर आसा ती संस्कृत तत्समांची आनी संस्कृत तद्‌भवांची. तत्सम उतर म्हळ्यार मुदलांत आशिल्लें तशें उतर. आनी तद्‌भव म्हळ्यार मुदलच्या उतरांत थोडो पालट जावन घडिल्लें उतर. देखीक : अर्भक हें उतर तत्सम आनी गाभ हें उतर तद्‌भव. अर्भक हें संस्कृत उतर कोंकणींत मुदलांत आशिल्लें तशें आसा आनी गाभ हें कोंकणींतलें उतर गर्भ ह्या संस्कृत उतरावेल्यान जालां. कोंकणी ही जातकेंच एक मोवाळ भास. ह्या तिच्या मोवाळपणाक लागून एकाद्रो आडवाद सोडल्यार तिजीं उतरां ट वर्गांतल्या व्यंजनानीं सुरू जायनात. हे तिजे वजेक लागून म्हणूंक सोंपीं आनी आयकूंक मंजूळ अशींच संस्कृत तत्समां तिणें आपणायल्यांत आनी जीं जडगुळो आसात तीं एक कडाळल्यांत तरी, ना जाल्यार मोव

तरी करून घेतल्यांत. म्हाका पाली आनी हेर प्राकृत भासांचो व्हडलोसो अभ्यास ना. पुण गोट्यावेल्यान शिताची पारख करूंक जाता. ताजेवैल्यान ह्या प्राकृत भासांतलीं जायतीं उतरां कोंकणींत घोळटिकेत आशिल्लीं दिसतात. इतलेंच न्हय तर तांचेर नाखशी चलौन तिणें नवीं उतरां घडैलीं दिसतात. पतीक, पालींतलीं सीस, पहा, मसाण, रोस, उम्मूल, लोण हीं उतरां घेवंया. सीस हें संस्कृत शीर्ष वा शिर ह्या उतरावेल्यान जालां. सीस हें उतर कोंकणीन ना. पुण ताजेपसून जाल्लें शिसल हें उतर आसा. पहा हें पाली उतर प्रभा ह्या संस्कृत उतरापसून जालां. पहा हें उतर कोंकणींत ना पुण पहाक लें जोडून फालें म्हळ्यार फांतोट हें उतर आसा आनी ताजेपसून फालेलें म्हळ्यार उजवाडलें हेंय उतर जाल्लें आसा. पालींतलें मसाण हें उतर स्मशानपसून जालां. पुण ताजेंच कोंकणींत मसण हें उतर जालां आनी त्या उतरापसून मसणो हें उतर घडलां. रोस हें रस पसून जालां. कोंकणींत तें तशातशें चलता आनी ताजेपसून रोसुलो हें उतर जाता. पालीं-तलें उम्मूल हें उतर उन्मूल पसून जालां. कोंकणींत त्याच उम्मूल पसून उमळ हें उतर जालां. ताजें क्रियापद उमटप-हुमटप अशें जाता. देखीक रूख उमटून वा हुमटून पडलो. पालींतलें लोण हें उतर मुदलांत संस्कृतांतलें लवण म्हळ्यार मीठ. कोंकणींत लोण उतर ना पुण ताजेपसून जाल्लीं लोण-चें आनी अलोणी-अळणी हीं उतरां आसात.

महाराष्ट्री प्राकृतांतलीं उतरां तर कोंकणींत घे म्हणून आसात. हालींच गाथा सप्तशती अभ्यासता आसताना असल्या उतरांचो हांवें एक कोशच करूंक घेतिल्लो. त्यांतलीं कांय आजूय कोंकणींत रूढ आसात तर कांय तिणें आपल्या सभावानुसार थोडीं मोवाळ करून घेतल्यांत. पतीक-रोस राजरोस मदलो, संझा-सांज, वलाअी-वळार, भाअण-भाण, संख संखासुरांतलो, पाहग्हारं-पांपर-फांपर (खांट), लुअ-लुंवप, ओणअ-ओणोव, पई (पति) पे [आडनांव], जाणइ-जाणां, पज्जलइ-पाजळटा, णवरं-न्हवरो, दसि-दशी (कापसाची), अम्ब-आंबो, मज्झ-म्हजें, णिडाल-निडळ, तुप्प-तूप, वेगअँ-वेग [वाळेंतराची], राई-रांय [माडांची], पहर-फार [काण्णाचो], मग्ग-जागमाग मदलो (माग म्हळ्यार मार्ग) अशीं कितलीं म्हणून सांगचीं? हांतलीं कांय जशाचीं तशीं कोंकणींत आसात तर कांय मात्शीं बदलून घेतल्यांत हें तुमच्या लक्षांत आयलांच. त्याभायर हातूंक अशींय कांय आसात कीं ज्यांच्या वैल्यान कोंकणीन कांय नवीं उतरां घडैल्यात. पतीक: भाण पसून भाणसिरें, संख पसून सांकवाळ, पांपर पसून फाफरमुटो, लुव पसून लुंवणी, आनी जाणय पसून जाणवीकाय आना जाण्टो.

येचा प्रमाणांत नासलीं तरी हेरा प्राकृतांतलींय जायतीं तत्सम आनी तद्भव उतरां कोंकणींत घोळटात. तरेकतरा प्राकृत भासांतलीं उतरां घडा आसतना मूळ संस्कृत उतरांतल्या वर्णांत कसो पालट जाता, कांय वर्णांचो कसो लोप जाता, कांय वर्णांची कशी वृद्धी जाता आनी कांय वर्णांचो कसो संकोच जाता ह्या संबंधान



व्याकरणकारांनीं जे नेम सोदून काडल्यात ते अभ्यासले जाल्यार तांतले कांय कोंकणी उतरांच्या घडणेक लागतात आनी कांय नवे तयार करिसारके आसात अशें दिसून येता. हाजेवैल्यान ब्रह्मावर्तांतल्या मूळच्या आर्यबोलीन तांचेभशेनच स्वतःचें खाशेलें प्राकृत वळण घेतलें जावं येता किंवा हेर प्राकृताच्या आनी विशेश करून महाराष्ट्री प्राकृतांच्या प्रभावाखालसून ती गेल्या जावं येता. सगळ्या प्राकृतांमदीं कोंकणीचेर चड प्रभाव आसा तो महाराष्ट्री प्राकृताचो. ताका लागून कोंकणींत आनी मराठींत तांतलीं खूबशीं समान उतरां आसात. त्याभायर तांच्यांत अशें कितें लागशिल्लें नातें आसा कि त्यो एकामेकालीं उतरां सहज आपणावंक शकतात.

सगळ्या प्राकृत भासांपोटीं कोंकणींत जशी महाराष्ट्री प्राकृतांतल्या उतरांची चड भरताड जाल्ली दिसता तशीच द्रवीड भासांपोटीं कन्नड भाशेंतलीं उतरां तिज्यांत कितलीं तरी चड आसात. हळेकन्नडाचो अभ्यास करून कोंकणी उतरावळीची तपासणी केली जाल्यार कोंकणींत संस्कृत उतरां आसात तांच्याय परस कानडी उतरांचो आंकडो अदिक जातलो, असो म्हजो तरी समज जाला. एक फावट हांव भारतीय बहुभाषाकोश घेवन बशिल्लों तेन्ना कोंकणी लोकामदीं घोळणुकेंत आशिल्लीं कितलीं तरी कन्नड उतरां चडसो त्रास घेनासताना म्हज्या हाताक लागलीं. पतीक कांय थोडीं हांव हांगा दितां: भत्ता-भात, अलसंदे-हळसांदे, सांसिवे-सांसव, बीम्बे-बोमूड (पोळ्यांतलें), मणिकट्टु-मणकट, किरंगळी-किरू अंगुळी, ऐलुबु-वेळ (बर ह्या अर्थान), राटें-राट, चाकु-चाकू, बरे-बरवप, तवर-तंवरें, तात्ति-तांतीं, मुत्तु-मोतीं, केम्पु-केम्प, वज्र-वज्र, अम्बली-आंबील, बावि-बांय, होदे-पोट, बोट्टु-बोट, मणे-म्हाणाय. अशीं कोंकणींत रूढ आशिल्लीं कन्नड उतरां कितलीं म्हणून सांगचीं? म्हजो तर समज जाला कीं संस्कृत आनी फारसी हांच्या एकचारांत जशी उर्दू भास जाल्या तशीच आयची कोंकणी भास ही आर्यांली वैदिक बोली आनी कोंकणांतल्या मुळच्या कोंक लोकांली पुरातन कन्नड भास हांच्या हजारांनीं वर्सांच्या सरभरशीन जाल्या. कन्नडांतील कितलीं क्रियापदां चालंत कोंकणींत अजून वापुरतात हाजो सुल्लूस कोणाय पुण ह्यो दोनय भासो बऱ्यो पचैल्ल्या जाणकारान घेवंक जाय अशें म्हाका दिसता.

कोंकणींत कन्नड खेरीज आनीकय जायत्या देशी आनी विदेशी भासांचीं उतरां कोंकणी जावन घोळटात. ताका कारण वेपार-वेव्हाराक लागून त्यो भासो उलौपी लोकां-कडेन आमचो इतिहासकाळांत आयिल्लो संबंध. भारताच्या वेगवेगळ्या भागांतल्यान आयिल्ल्या लोकांक आनी तार्णीं हाडिल्ल्या जिनसांक लागून तांच्या तांच्या भासांतलीं कितलीं तरी उतरां कोंकणीचो धुपूत जावन आसात. देखीक तोर आनी सणिबियां हीं उतरां 'तुवरै' आनी शणलविदै ह्या तमीळ उतरांवैल्यान आयल्यांत. खाडकी हें उतर खाडी ह्या सिंधी उतरावैल्यान जालां. पावल हें उतर पाहूल ह्या उडिया उतराचें रूप.

मुड्डो आनी हाड हीं उतरां मुदी आनी हड्डी ह्या उर्दू उतरांवैल्यान घडल्यात. फकी हें उतर फक्की ह्या पंजाबी उतरावैल्यान घडलां. कुमान्न, नांगर आनी तिरवें हीं उतरां कुमारनि, नांङल आनी तिरवा ह्या असमिया उतराचीं रूपां. तुतयो, गोंयडेबार आनी साबारें हीं उतरां सुत्ति, गोणेविह्ल आनी सांबारु ह्या तेलगु उतरांवैल्यान जाल्यांत तर वरकूल आनी आतकाटी हीं उतरां मल्याळी भासेंतल्यान आयल्यांत. तसो सोद घेतल्यार कोंकणींत आयिल्ल्या असल्या भायल्या उतरांचो एक पकदस्त कोश सहज तयार करुं येत.

कोकणच्या बंदरांनीं भायल्या जायत्या देशांतले लोक वेपार उद्योगाक लागून येरादारी घालताले आनी तांतले कांय थंय मांडिल्लेय अशें इतिहासकार सांगतात. तातूंत सुमेरियन, असीरियन, बॅबिलोनियन, तुर्क, अरब बी लोक आशिल्ले खंय. तशें जाल्यार तांगेलीं जायतीं उतरां आमचे भासेंत रिगून तीं हांगचीं थळावीं उतरां जाल्यांत आसूंक जाय. न्हेंनें आनी नाळमें हीं उतरां सुमेरियन भासेंतलीं हें अंदूच्या 'गोमंतक'च्या दिवाळे आंकांत अनंतबाब धुम्यानीं दाखौन दिलां. पुर्तुगेज–इंग्लेज उतरां कोंकणींत भरसल्यांत तीं त्या मानान हालींच्या काळाक. आमी ह्यो दोनय भासो जाणा जाल्ल्यान तीं वळखूंक सोपीं. बुक, मनवार, किलंडर अशीं इंग्लेज उतरां आतां कोंकणींत घरावीं जावन बसल्यात. पोरां तोरां लेगींत तकलेन घील अशें म्हणचें जालें जाल्यार आउट ह्या इंग्लेज उतरावैल्यान 'सामको आवटो मरे हो!' अशें म्हण्टात. पुर्तुगेज उतरांसंबंधान तर विचारूंकच नाका. पुण कोंकणींत येतना तांचें मुदलचें रूप कितलें तरी बदलता. कोंफेसारचें कुमसार, वियातचें वियांतीण, कादेरचें कदेल, ज्यानेलचें जनेल, कामीजचें खोमीस अशीं मुळचीं पुर्तुगेज उतरां कोंकणी वळण घेतात. पुण तींच उतरां जर ल्हान आनी सुटसुटीत आसतीत तर मुदलच्या रूपांत तीं उरतातय. देखीक : व्हिरार वैल्यान विरार – तकलेन विरार जाला रे? असो ह्या उतराचो वापर जाता. ऑर पसून वर, कोर रेंग ह्या अर्थान आनी फाल्स फट ह्या अर्थान. हालींच्या तेंपाक असलीं पुर्तुगेज उतरां वरपांतल्यान कटाक्षान काडून उडवपाचो जो पैठ पडूंक पळेता तो कोंकणी भासेच्या गिरेस्तकायेचे नदरेन म्हाका मोटोसो तोखणायेचो दिसना. असल्या उतरांचो गरजेभायर जो अतिरेक चलिल्लो तो आळाबंदाक हाडूंक जाय हें खरें; पुण ज्या फिरंगी तद्‌भवांक आमच्या होलमाक नाशिल्ली खाशेली अर्थकळा आयल्या ती आमी आमचे भासेंतल्यान भायरी करूंक फावनात. विनोबानीं एकदा सांगल्लें कीं मॅड ह्या इंग्लेज उतराचो मराठी लोकान जेन्ना मॅडोबा केलो तेन्ना तो विनोबाचो भाव जालो. ताका ताच्यान भायर कसो काडुं येता? सांगचेलें सार हें कीं कोंकणीचो तालीम घेवन जीं भायलीं उतरां आपलीं जालीं तीं कोंकणीच अशें लेखून आमी आमचे भासेची आस्पत वाडौंक जाय.



## कोंकणी उतरांच्या घडणुकेचे नेम

कोंकणी उतरावळींतलीं तत्समां जावं तद्‌भवां जावं खंच्या खंच्या पुर्विल्ल्या आनी आर्विल्ल्या भासांतल्यान पुंजा जाल्यांत जातलीं हाजो विचार आमी केलो. आतां कोंकणी उतरावळीच्या घडणुकेच्यो जितल्यो कळासो वा नेम आमच्यांनीं उस्तून वा सोदून काडुं येतात तितल्यो काडपाचो येत्न आमी करून पळौंया.

शीं हें एक कोंकणी उतर. मुदलांत 'शीत' ह्या संस्कृत उतरांतल्या निमाण्या अक्षराचो अपभ्रंशाच्या नेमानसार लोप जावन आनी कोंकणीच्या सभावानसार उरिल्ल्या शी अक्षरांत अनुनासिक भेदून हें उतर जालां. पुण इतल्यार हें उतर थांबना. तें बी जावन वियेता आनी तांतल्यान शेळें, शेळो, शेळाव, शेळ, शेळवण, शियाळें, शियेल, शेळवप अशीं विंगड अर्थाचीं तरेक तरां उतरां तयार जातात.

आतां संस्कृतांतलें पिष्ट हें उतर घेवं या. ताका कोंकणी रूप येतना अर्धा प चो लोप जावन पैलें न्हस्व अक्षर दीर्घ जाता आनी निमाण्या ट चें ठ जावन ताजें पीठ हें उतर जाता. पुण तितल्यार ही प्रक्रिया थांबना. पीठ ह्या उतरार माल्सो संस्कार जावन पिठो, पिठी, पिठें, पिठूळ अशीं उतरां जावंक लागतात.

अशेंच एक उतर 'उश्टें' हें संस्कृत उच्छिष्ट ह्या उतरावैल्यान उश्टो हें विशेषण जाता. उश्टावप हें क्रियापद जाता. परतें त्या क्रियापदावैल्यान उश्टावण हें नाम जाता. त्या भायर उश्टवारो हेंय उतर तयार जाता. ह्या उतरांत 'उश्टें' आनी 'वारो' हीं दोन उतरां जुगतात पुण त्या दोगांयपरस निराळो अर्थ ह्या उतराक प्राप्त जाता. म्हाळशेच्यो कशो ह्यो कोंकणीच्यो सतरा कळा पळेतकच दिसता किं त्यो सारक्यो विस्कून दाखौंक तिजे पोटीं एकादो पाणिनीच जल्माक येवंक जाय. तेदी तांक म्हाका नाशिल्ल्यान तिज्यो म्हाका होलमल्यो तितल्योच कळा तुमच्या लक्षांत हाडून दिवपांत म्हाका संतोश मानूंक जाय.

## वर्णांतर

संस्कृतांतली वा हेरां भासांतलीं उतरां जेन्ना कोंकणी रूप घेतात तेन्ना तांतल्या मुदलच्या वर्णांत पालट कसो जाता हें आतां पळौंया.

### स्वरांतलो पालट

१) 'ऋ' च्या जाग्यार रि, रु, अ, आ, इ, उ हांचेपैकीं एकाद्रो वर्ण येता—

देखीक : ऋण–रीण, ऋषि–रुशी, अनृत–अनवत, कृत्य–काज (कामकाज मदलें), कृमि–किरमी, ऋजु–उजू.

२) 'अ' च्या जाग्यार आ, इ, उ, ओ, ऑ हांचेपैकीं एकाद्रो—
देखीक : आम–आंव, अंगार–इंगळो, अमावास्या–उमास, अर्पण–ओपणी, ब्रह्मा–ब्रोमो.

३) 'आ' च्या जाग्यार अ, इ, उ, ए, ओ हांचेपैकीं एकाद्रो—
देखीक : शाप–सवे, सदा–सदीं, श्वान–सुणो, ज्वाला–झेल, आतप–ऑत.

४) 'इ' जाग्यार अ, ई, उ, ए, ऑ हांचेपैकीं एकाद्रो—
देखीक : मति–मत, कलिका–कळी, इक्षु–ऊशि,: सिंदूर–शेंदूर, नीर पसून नेरावप, द्विप्रहर–दॉनपार.

५) 'ई' च्या जाग्यार अ, इ, ऊ हांचेपैकीं एकाद्रो—
देखीक : शुण्ठी–सूंट, कीट–किडो, जीर्ण–जून.

६) 'उ' च्या जाग्यार अ, इ, ऊ, ऑ हांचेपैकीं एकाद्रो—
देखीक : तुम्बर–तंबारो, सुतूक–शिटूक, वेणु–वेळू, तुंड–तोंड.

७) 'ऊ' च्या जाग्यार अ, इ, उ, ओ, ऑ हांचेपैकीं एकाद्रो—
देखीक : बिंदू–बुंदी, कूष्मांड–कुंवाळो, मयूर–मोर, ऊध–होंट, चमू–चोमो.

८) 'ए' च्या जाग्यार ई येवं येता. देखीक : स्नेह–शीण.

९) 'ओ' च्या जाग्यार अ, आ, उ, ऑ हांचेपैकीं एकाद्रो—
देखीक : वोढव्या–वडवी, ओध (ओह)–व्हाळ, कोलाहल–कुलाळ, अग्नि-होत्र–अग्निहॅत्र.

१०) 'औ' च्या जाग्यार व, आ, उ, ओ, ऑ हांचेपैकीं एकाद्रो—
देखीक : कौरव–कंवरव, नौवित्त–नायतो, यौवनु–जुवानपण, लौकिक–लोकीक, मौनी–मॉना.

खैंच्याय भासेंतलें उतर कोंकणी जाता आसतना तें आपणाले मुदलचे स्वर कशे बदलता तें आमी पळेलें. आतां तांतलीं व्यंजनां कशीं बदलतात तें पळौंया. तीं बदलतात तशीं गळटातय. उतर घट्टना जीं व्यंजना केन्ना केन्ना गळटात तीं म्हळ्यार क, ग, ज, त, द, य, व हीं. देखीक :

देवकुल ह्या मूळ उतरांतलें क गळून देऊळ जाता. कुलगृह हातुतलें ग गळून कुळार जाता. वच ह्या क्रियापदाचें वर्तमान काळांतलें एकवचनी रूप खरें म्हळ्यार सदांच्या नेमाप्रमाण वचना जावंक जाय. पुण तें तशें जायना. तर तांतलो च गळून



वता अशें जाता. भाजन हाजें ज गळून भाण अशें जाता. इतर हांतलें त गळून हेर अशें जाता. नदी मदलें द गळून ताजें न्हय जाता. वलयकार म्हळ्यार कांकणकार. तांतलीं य आनीं क हे वर्ण गळून ताजें वळार जाता. आनी जीवन ह्या उतरांतलें व गळून ताजें जीण अशें उतर जाता.

क, ख, ग, घ हांतूंत केन्ना क चें अ जाता, केन्ना ख जाता, तर केन्ना ग. देखीक : पुत्रक--पुत्तअ--पूत, नासिका--नाख, भक्त--भगत.

'ख' चें क, ग, घ, व हांचेपैकीं एक खैंचेंय जाता- देखीक : शंखनलिका-संकनळी, वख्त--वगत, रेखा--रेघ, मुख--म्होवें.

'ग' चें क वा घ जाता-देखीक : साग-शाक, गृह-घर.

'घ' चें ग, व किंवा ह जावं येता. देखीक : जंघा–जांग, लघु–ल्हव, अघोस--अहो, आहो.

'च' चें ज, ख वा य जावं येता. देखीक : सहचार–शेजार, शची-सखी, सूचि-सूय.

'छ' चें च, श वा स जावं येता. देखीक : छल्ली–चोळी, छाप–शाप, छत्री–सत्री.

'ज' चें झ आनी 'झ' चें ज जाता. युद्ध हाजें मुदलचें कोंकणी रूप जूझ. पुण फुडें तें झूज अशें जाता. 'ज' चें 'च' य जाता. देखीक : व्रज–वच. केन्ना 'य'य जाता. जशें--लाजा--ल्हाय.

'ट' चें ड जाता देखीक तट–तड, वट–वड.

'ठ' चें ड जाता. जशें मठग्राम–मडगांव.

'ड' चें ळ जाता. जशें दाडिम–दाळिंब.

'ढ' चेंय ड जाता—जशें वाढव्या–पडवी.

'ण' चें न जाता. भाभण–बाबनी.

'त' चें च, थ, द हांचेपैकीं खैंचेंय एक जावं येता. देखीक : मतकर–मचकर, मस्तक–माथें, आयतन–आयदन.

'थ' चें त वा ठ जावं येता. देखीक : स्थबक–तबक, स्थपति-ठवय.

'द' चें ध वा ज जाता. देखीक : दोहद–धुवाळो, वैद्य–वैज, 'व'य जाता : जशें, मृदु–मोव.

'ध' चें झ, द व वा ह जावं येता—देखीक : युद्ध–जूझ, दुग्ध–दूद, साधु-साव, मधु-महु—म्होंव.

'न' चें ण जाता तशेंच 'ल' य जाता— देखीक : फेन - फेण, नवनीत–लोणी.

'प' चें फ, ब व हांचेपैकीं एकाद्रें जावं येता. देखीक : पंक्ति–फांती, जाप–जाव, ताप–ताव.

'ब' चें व जाता. देखीक : अंबा–अब्वा–आवय.

'भ' चें ब व वा म जावं येता. देखीक : भाभण श्रेष्ठी–बाबन शेट, लाभ–लाव, भणितलें–म्हळें.

'म' चें व जाता. देखीक : आम-आंव, केन्ना केन्ना ब वा 'भ'य जांव येता. जशें – दाडिम-दाळिंब, मिश्रण–भेसळ.

'य' चें ज जाता. देखीक : यति–जती, योग्य-जागो, योगी-जोगी, केन्ना केन्ना 'व'य जाता. देखीक : वायू-वाव.

'र' चें ड वा ळ जाता. देखीक : उदुंबर-उम्बर- रुमड, विपारी—विखाळो.

'ल' चें ळ वा र जाता. जशें—बल-बळ, नांगल–नांगर.

'व' चें ब जाता. जशें—वेर्गी–बेर्गी, वेत्र–बेत, केन्ना 'य' जाता. देखीक : मानव मानाय. 'भ' य जाता. जशें---वेष–भेस.

'श' चें स वा च जावं येता. देखीक : शूल–सूळ, शाव्हि–शापॅव, चावी–चेपें.

'ष' चें श, स वा ख जाता. देखीक : दूषण–दुशण, वेष–भेस, विष–वीख.

'स' चें श वा ह जावं येता. देखीक : साबांव—शाबू , स्नान—न्हाण.

'ह' चें व जाता. देखीक : सिंह-शींव,

'क्ष' चें क, ख, स हांचेपैकी खैंचेय एक जावं येता. देखीक : भक्ष-भकप, वृक्ष-रूख, मक्षिका—मूस,

येथवर कोंकणी उतरां घडटा आसताना मुदलच्या उतरांत वर्णांतर कशें जाता तें हांवें सांगलें. हांवें आतांमेरेन सांगल्यात ते म्हाका दोलमल्ले नेम. फुरसदीच्या अभावी अजून कांय नेम म्हाका सांपडनासताना उल्ल्यात जावं येता. तांचो सोद घेवंक जाय.

ह्या वर्णांतराच्या मुळाक तीन कारणां आसात. तीं म्हळ्यार कोंकणी मनशाचें मन, ताळो आनी कान. ताजें मन मोवाळ, म्हांवाळ आनी सुक्षीम. देखून तो अशींच उतरां आपणायता किं जीं अर्थाची आनी सोबीतकायेची आपली भूक भागैतीत, ताळ्यांतल्यान सहज काडुं येतीत आनी कानाक मोव आनी मंजूळ लागतीत.

आमी जे कोंकणी बरयी आसात ताणीं हेरां भासांचीं नवीं उतरां घेता वा नवीं घडैताना कोंकणी मनाचो म्हळ्यारच कोंकणी भाशेचो हो सभाव एक खिणलेगीन विसरूंक फावना. तशें केल्यारच हीं नवीं उतरां जीव घेतलीं आनी तिगतलीं.

येथवर कोंकणी उतरावळीचें मुळावण आमी तपासलें. ती जोडटा घडटा कशी तें फाल्यांच्या व्याख्यानांत पळोंया.



शणै गोंयबाब हांच्या उगडासाक कोंकणी भाशा मंडळान सुरू केल्ले 'वालावलीकार व्याख्यानमाळें'त ता. ९ एप्रिल १९७३ दिसा दिल्लें दुसरें व्याख्यान.

उतरांचो विचार तीन तरांनीं करूं येता. तांची वर्गणां कशीं पड्टात, तांकां विकार कशे जड्टात आनी मूळ उतरांपसून नवीं उतरां कशीं घड्टात ह्यो तीन तरा. वर्गणां म्हळ्यार उतरांच्यो जाती. नाम, सर्वनाम, विशेशण, क्रियापद, शब्दयोगी अव्यय, क्रिया-विशेशण अव्यय, उभयान्वयी अव्यय आनी केवलप्रयोगी अव्यय. ह्या आठांपैकीं पैल्या चारांक विकार जातात आनी उरिल्लीं चार मुदलांत आशिल्लीं तशीं उरतात. ह्या दोन तरांचो विचार हो व्याकरणाचो विशय. आमकां आज करचेलो आसा तो तिसरे तरेचो. म्हळ्यार उतरां कशीं घड्टात आनी एकदां तीं सिद्ध जावन भाशेंत थीर जातकच केन्ना तांकां उपसर्ग वा प्रत्यय लागून, केन्ना एकाच उतराची पुनरावृत्ति जावन, केन्ना ते पुनरावृत्तींत मात्सो किरकोळ पालट घडून तर केन्ना तीं जुंवळून नवीं उतरां कशीं घड्टात हाजो. हीं उतरां कशीं घड्टात हाजी नाट गंवसली जाल्यार गरजेपरत्वें खैंचोय नवो आशय सांगपाक आमकां उतरां उणीं पडचीं नात. तीं आमकां आशयाच्या उमाळ्या वांगडा सहज कोमावन आनी किल्लावन काडूंक येतलीं. ही नाट शणै गोंयबाबांक सांपडिल्ली. देखूनच आपणाले संवसार–बुद्टेंत बिक्रूद अशें खगोलशास्त्र तांकां सोंप्या आनी सभावीक कोंकणींत सांगूंक आयलें. तातूंत ताणीं केदी तरी नवी उतराबळ घडल्या. पुण ती अडेची वा गडखळ दिसना तर सभावीक आनी सैमाची दिसता. आज आमचेमर्दां कोंकणी बरपावळ जायती जाता. ते सरशीं जायतीं नवीं उतरां कोंकणींत रिगिल्लीं दिसतात. पुण आमगेले बुद्दीचे आदांवतीक लागून तांतलीं बरीचशीं संस्कृतांतल्यान वा मराठींतल्यान जशाचीं तशीं म्हळयार तांकां कोंकणी रूप दिनासताना घेतिल्लीं आसतात तर कांय कोंकणी उतरावळीचे नेम लक्षांत घे नासताना घडेलीं आसतात. हे खोडीक लागून भाशेचे सभा-विकपण आनी सोबीतपण हीं तर भंगतातच. ह्या भायर लोकाच्या मनांत तीं रुजवण घेवंक पावनात. कोंकणी उतरावळीची जोडणूक आनी घडणूक ह्या विशयाचें म्हत्व आनी अगत्य भाशेची तांक आनी तांकसाळ ह्या दोनय आंगांच्या नदरेन कितलें आसा हें इतल्यान तुमच्या लक्षांत आयलां जातलें अशें हांव धरून चलतां. उतरावळीचे जडणुके--घडणुकेचो विचार करतानांच आमचो लोक उतरांच्या वाच्यार्थाक नवेनवे अळंकारिक अर्थ कशे जोड्टा हे संबंदानय थोडे भोव उल्लेख येतले. हेतु हो कीं आमगेल्या बरप्यानीं भाशेंत आशिल्लीं उतरां असल्या नव्या अर्थांनीं भारावचीं.

हांवें आरंभाकच सांगिल्लें कीं आमगेले कोंकणी भाशेंत संस्कृत, प्राकृत आनी हेर भायल्या भितल्ल्या भासांतलीं जायतीं तत्समां घोळटात. तांतलीं बरींचशीं आपलो मूळ अर्थ घेवनच वावुरतात. पुण कांय अशींय आसात कीं ज्यांकां आमच्या लोकान

मुदलांत नाशिल्लो अर्थ दिला. ज्यांणीं आपल्या असल्या उतरांनीं कोकणीची कोठी भल्ल्या त्यो सगळ्योच भासो कितें हांवें अभ्यासिल्ल्यो नात. ताका लागून असलीं सगळ्याच भासांतलीं उदाहरणां हांव दिवंक शकना. पुण म्हाका होलमल्ल्या कांय उदाहरणांवेल्यान कोकणीची ही प्रवृत्ती वळखूंक येता. संस्कृतांत अदृष्ट म्हळ्यार भविष्य पुण कोकणींत अदरष्ट म्हळ्यार नशीब, संस्कृतात अभंग म्हळ्यार भंगना तें पुण कोकणींत ताजो अर्थ मळब. म्हाकाय तो खबर नाशिल्लो. पुण कारवारच्या एका कोकणी ओपारींत तो अर्थ म्हाका मेळ्ळो. ती अशी : अभंग फुटल्यारि ताका कपि लावंक जायत वे ! संस्कृतांत नक्षत्र म्हळ्यार मळबांतलें नक्षत्र. कोकणींत तो तर अर्थ आसाच. त्या भायर दुसरोय एक आसा. त्या अर्थांत नक्षत्र म्हळ्यार जातक वा टिपण. संस्कृतांत निर्मल म्हळ्यार निवळ. कोकणींत निवळ ह्या अर्थांत निर्मलचें निर्मळ जाता. पुण ताका दुसरोय अर्थ आसा. तो म्हळ्यार तुळशीचें पान. ज्याच्या प्रोक्षणान सगळें पवित्र वा निवळ जाता तें.

पुर्तुगेज भाशेंतलीं Atrevido, absoluto, quilate आनी Ave Maria ह्या चार उतरांचे अर्थ तुमी सगळे जाणात. पुण कोकणींत जेन्ना आमी अत्रवीद, आप्सुलाद, कालेत आनी आमोरी म्हण्टात तेन्ना तांचे अर्थ सामके वेगळे.

मराठींत मळभ म्हळ्यार ढगळ पुण कोकणींत आकास. मराठीत फटींग म्हळयार एकटुको तर कोकणींत फटकिरो. मराठींत कलंदर म्हळयार जो कसलीच जापसालदारी लावन घेना तो. पुण कोकणींत कळिंद्री म्हळ्यार कळा वचून दीन जाल्लो. मराठींत अवसर म्हळ्यार वेळ किंवा फुरसत. कोकणींत ह्या अर्थाभायर ताका भार होय अर्थ आसा. 'सृ' ह्या संस्कृत धातूपसून तो जाला खरो. पुण भार ह्या अर्थान तो संस्कृतांत ना. कोंकणींत हेरा भासांतल्यान आयिल्लीं असलीं नवी अर्थकळा घेतिल्लीं तत्समां सोदतल्याक जायतीं मेळूंक फाव.

## मूळ उतरां आनी साधित उतरां

जगेक भाशेंत कांय मुळावीं उतरां आसतात. तीं मुदलांत दुसरे खंच्याय भाशेंतल्यान आयिल्लीं आसूं. काळान्तरान तीं ते भाशेंतलीं मुळावीं आनी थळावीं उतरां जाल्लीं आसतात. तांकांच केन्नां एक दोन अक्षरां फाटीं लागून तर केन्ना एक दोन अक्षरां फुडें लागून आनी केन्ना दोन उतरां एक जावन वा एकच उतराची पुनरावृत्ति जावन नवीं उतरां घडत आसतात. असल्या उतरांक साधित उतरां म्हण्टात. उतरांच्या फाटल्यान जें अक्षर वा जीं अक्षरां लागतात तांकां उपसर्ग म्हण्टात. देखीक : अपशब्द, अपमान, अपसरण. हांगा मूळ उतराक 'अप' हो उपसर्ग लागून हीं उतरां घडल्यांत.



मूळ उतरांक जीं एक दोन अक्षरां फुडल्यान लागतात तांकां प्रत्यय म्हण्टात. देखीक : रुखावळ, पिलावळ, भुरावळ. हीं उतरां मूळ उतरांक आवळ हो प्रत्यय लागून जाल्यांत.

साधित उतरांचो तिसरो प्रकार म्हळ्यार जोडगर्‍ीं उतरां वा समास. हीं केन्ना दोन उतरां एक जावन जातात. देखीक : कपाळ--फोडणी, फूल–चामळ, न–पड. केन्ना तीं एकाच उतराची द्विरुक्ति जावन जातात. देखीक : म्हाका कल जालें. ह्या वाक्यांतल्या कल ह्या उतराची द्विरुक्ति जावन कलकललें अशें सामासिक क्रियापद जाता तर केन्नां कलकलो अशें सामासिक नाम जाता. केन्ना मुदलचें उतर द्विरुक्ति जातना मदलें एकाद्रें अक्षर बदलून घेता. देखीक : गणमणप, सरभरस, तळमळप, असल्या पुरत्या वा अपुरत्या द्विरुक्तीन जीं समासिक उतरां जातात तांकां अभ्यस्त अशें वेगळें नांव कांय व्याकरणकारांनीं दिल्लें आसा आनी स्वतंत्रपणान तांचें वर्गीकरण केल्लें आसा.

प्रत्यय लागून जीं उतरां घडात तांचे दोन म्हत्वाचे उपभेद आसात. ते म्हळ्यार कृदन्तां आनी तद्धितां. धातूंक प्रत्यय लागून जीं उतरां जातात तीं कृदन्तां आनी हेरां उतरांक प्रत्यय लागून जीं जातात तीं तद्धितां. हांकां धातुसाधितां आनी शब्दसाधितां अशेंय म्हण्टात.

## संस्कृत उपसर्ग

हांवें काल्च्या म्हज्या भाशणांत आरंभाकच सांगलां कीं आमची भास मुदलांत जरी संस्कृतांतल्यान उपजल्या आसली तरी तिका निजाची अस्मिताय येतसावन ती आपणाले भैणीभासांभशेन हाड व्हर संस्कृतांतलीं उतरां जशाचीं तशीं आडगत घेना. आपले कालेतीक मानवतात अशीं माणकुलीं आनी मंजूळ तत्सम उतरां तिणें सांबाळल्यांत. गरजेपरतें तसलीं नवीं उतरां घेवंक तिका अनमनपाचें कारण ना. ती चड करून घडटा आनी घोळयता तीं संस्कृत तद्भवां. ताका लागून आमचे भाशेंत संस्कृत उपसर्ग भोव थोडे. पुण ते आसात आनी ते खाशेल्या कोकणी उतरांक पसून लागतात. अशा उपसर्गांनीं घडिल्ल्या उतरांचें कांय नमुने आता पळौया.

मुदलांत 'अति' हो संस्कृतांतलो एक उपसर्ग. कोकणींत 'अति' जालें अशें म्हण्टना आमी स्वतंत्र उतर म्हणून ताजो उपेग करतात आनी ताजेपसून अतिताय अशेंय उतर आमी घडलां. पुण उपसर्ग म्हणूनय तें आमी वापरतात. देखीक : अतिरेक, अतिप्रसंग, अतिसार, अत्यंत, अतिरीत.

'अ' हो उपसर्ग लागून : अटळ, अढळ, अद्दड, अवेळ, अचळ, अचळय,

अखितय, अजरंवर, अमाप, अजाण, अमान्य, अचूक, अबुद्दी, अहित, अन्नाप इत्यादि.

'**अन्-अनु**' देखीक : अनमान, अनवत, अनपत, अनुमान, अनुरूप, अनुपान, अनुस्वार, अनुकरण; अन् किंवा अनु ह्या उपसर्गाक कोकणींत अण् अशें रूप येता आनी ताकाय लागून उतरां घडात. देखीक : अणभव, अणकार, अणजाण.

'**अप**' पसून : देखीक : अपकर्श, अपकार, अपकीर्त, अपजय, अपशब्द, अपभ्रंश, अपमान, अपराध, अपशकून, अपहार, अपेस, अपघात, अपसरण, अपलाप, अपंग, अपसव्य इत्यादि.

**अभि**–लागून. देखीक : अभिनंदन, अभिप्राय, अभिमान, अभिळाश, अभीश्ट, अभ्यास, अभ्यागत, अभ्युदय, अभिशेक इत्यादि.

**अव**—लागून. देखीक : अवकृपा, अवगत, अवलंब, अवगूण, अवज्ञा, अवलंब, अवतार, अवसर, अवधान, अवस्था, अवचिन्न, अवरोध, अवदिसा, अवसान, अवलक्षण, अवकळा, अवचित, अवजड, अवमान, अवघड इत्यादि.

**आ**— लागून. देखीक : आकर्शण, आकलन, आक्रोश, आगमन, आचरण, आचारवाणें, आदन, आधार, आहार, आग्रो, आसरो, आभास, आभार, आक्षेप, आकुंचित, आखित, आस्तिक, आकार, आवतिकाय, आकंठ, आलोचन, आमरण, आदर, आरंभ, आवर्तन इत्यादि.

**उत्** (उद्) – लागून : देखीक : उत्कर्श, उत्तम, उत्तेजन, उत्पत्ति, उत्पन्न, उत्पात, उत्सव, उल्हास, उत्साह, उत्सुक, उदाहरण, उद्‌गार, उद्योग, उन्नति, उदय, उद्वेग, उद्‌ध्वस्त, उथापन, उस्वास, उमळट, उश्शाप, उल्लेख, उद्देश, उत्कंठा, उद्यापन इत्यादि.

**उप** – लागून. देखीक : उपचार, उपकार, उपदेश, उपद्रव, उपास, उपभोग, उपमर्द, उपयोग, इत्यादि.

**दुर–दुस**— लागून. देखीक : दुरुत्तर, दुर्गुण, दुर्जन, दुर्घट, दुर्दशा, दुर्बोध, दुर्भाग्य, दुर्भिक्ष, दुर्लक्ष, दुर्लभ, दुर्बळ, दुस्सह, दुच्छिन्न, दुश्कर्म, दुस्तर इत्यादि.

**नि** – लागून. देखीक : निग्रह, निबंध, निमग्न, निरूपण, निखाडयो, निलोपें, निवळ, निमाणो, निरस, निलाजरो, निपाळवें, इत्यादि.



**निर, निस**– लागून. देखीक : निरंतर, निरपराधी, निरर्थक, निरक्षर, निरीक्षण, निरास, निरोगी, निस्तेज, निर्भय, निर्णय, निर्लज्ज, निर्धन, निर्धार, निर्वाह, निश्चय, निश्कारण, निर्फळ, निर्धास्त, निश्काळजी, निश्कपट, निश्चळ, निश्कलंक, निसण, निश्टूर, निस्तर, निस्तारप, निश्टंक इत्यादि.

**परा** — लागून. देखीक : पराकाश्टा, पराभव, पराक्रम, पराजय, परामर्स इत्यादि.

**परि**--लागून. देखीक : परिचय, परिपाट, परिहार, परिमित, परिवार, परिणाम. कोकणीत '**परि**' ह्या उपसर्गाक पर अशें केन्ना केन्ना रूप येता. देखीक : परवार. म्हळ्यार परिवारांतलो. प्र लागून. देखीक : प्रकरण, प्रकृति, प्रकार, प्रख्यात, प्रघात, प्रमाण, प्रभाव, प्रमुख, प्रयोग, प्रमार, प्रस्थान, प्रळय, प्रजा, प्रखर, प्रचंड, प्रताप, प्रदोश, प्रचळ, प्रवेश, प्रवाह, प्रदेश, प्रवृत्ति, प्रसन्न, प्रसाद, प्रदक्षणा, प्रवाद इत्यादि.

**प्रति**--लागून–देखीक : प्रतिकूळ, प्रतिकार, प्रतिसाद, प्रतिक्रिया, प्रतिनिधि, प्रतिपक्ष, प्रतिपादन, प्रतिबंध, प्रतिपाळ, प्रतिमा, प्रतिश्ठा; प्रतिस्पर्धी, प्रतिज्ञा, प्रतीक्षा, प्रत्येक, प्रत्युत्तर इत्यादि. कोकणींत प्रति हाजेंच पड जाता. देखीक : पडबिंब, पडजीब, पडसाद, पडहात, पडताळो इत्यादि.

**वि**--लागून. देखीक : विकार, विख्यात, विचार, विलाप, विदेश, विधवा, विचल, विसब, विसर, विकळाप, विवाद, विशेश, विनंति, विद्‌वाट, विध्वंस, विघोड, विजोड, विकाळ, विक्षेप, विज्ञान इत्यादि.

**सम्**–लागून. देखीक : संकल्प, संकोच, संक्रांत, संगम, संक्षेप, संपूर्ण, संगीत, संग्रह, संचय, संचार, संतोप, संताप, संधान, संपादन, संसार, संस्कार, संहार, संशय, संरक्षण, संघष्टण, संयोग इत्यादि.

**स**–लागून. देखीक : सगोत्र, सदळ, सभोंवतणीं, सरस, सफळ, सकस, सबळ, सार्थ, सलग, सभराभरीत, सधन इत्यादि.

**सु**–लागून. देखीक : सुकृत, सुग्रास, स्वागत, स्वल्प, सुगम, सुभाषित, सुसह्य, सुलभ, सुलक्षणी, सुशिक्षित, सुशोभित, सुश्राव्य, सुधारणा, सुकळ, सुलस, सुजाण इत्यादि.

ह्या संस्कृत उपसर्गांखेरीज संस्कृतांतलीं कांय विशेषणां आनी अव्ययां हांचो

उपसर्गासारको वाफर जावनय उतरां घडटात. अन्तर, अधस्, अलम्, कुन, पुनर्, सत्, सह हीं तांतलीच. ती लागूनय उतरां जातात. देखीक : अंतरपसून, अंतस्करण, अंतर्भाव, अंतर्याम, अंतर्गाम, अंतरध्यान, अंतर पाट, अंतरज्ञान इत्यादि.

अधस्-लागून. अधःपात, अधोगति, अधाशी. अलम्-लागून : अलंकार. कु-लागून : कुसंग, कुरूप, कुबुद्दि, कुकर्म, कुचाळी, कुपथ्य. न-लागून. न-पड, नकळत, नुलैत, नपुरवण, नावड, नायटो. पुनर्-लागून : पुनर्जल्म, पुनर्विवाह. सत्-लागून : सज्जन, सत्कर्म, सदाचार, सद्गुरु, सद्वर्तन, सद्भाव, सच्छील, सत्कार्य इत्यादि. सह्-लागून. सहज, सहवास, सहकुटुंब, सहपरिवार इत्यादि.

## कोकणी उपसर्ग

**अ वा अन्**-लागून : अजाण, अणजाण, अनवाळो, अनवळखी. (मुदलांत हो संस्कृत आसलो तरी आतां तो कोकणी जाल्ल्यांत जमा).

**अड वा आड**-लागून : देखीक : अडचण, अडचप, अडखळप, आडवलः आडवाट, आडावण, आडमेळें, आडवाट, आडगत, आडांबो, आडखळ, आडनांव, आडरान, आडगांव, आडवेळ, आडमार्ग, आडवो इत्यादि.

**अद् आद वा अर्द**-लागून : अदपाव, अच्छेर, आदेस, अर्देली, अदमुरें इत्यादि.

आप-लागून : आपसुवार्थ, आपमतलब, आपरोस, आपखोशयेन, आपसूक वगैरे.

आस्-लागून : आस्पत, आस्पाव, आस्तिक.

## फारशी अरवी उपसर्ग

ऐन-लागून : ऐन खर्च, ऐन पावसाळ्यांत, ऐन रंगांत, ऐन घडये वगैरे.

कम-लागून : कमनशीब, कमजोर, कमकुवत, कमअस्सल इत्यादि.

गैर-लागून : गैरसमज, गैरशिस्त, गैरखर्च, गैरहजर, गैरसावध, गैरसोय, गैरविलो. [ गैर हाजो मूळ अर्थ फाटीं पडून कोकणींत वायट असो अर्थ ताका आयला ]. देखीक : ताणें हें गैर केलें.



दर-लागून : दरेक, दररोज, दरसाल, दरदिसा, दरघडये, दरजाणाक वगैरे.

ना-लागून : नालायक, नापसंत, नादान, नाख्श, नाइलाज, नाकबूल, नादुरुस्त, नाचक्की, नालस्त.

बे-लागून : बेमान, बेअदबी, बेदम, बेफिकीर, बेफाम, बेसुमार, बेमुर्वत, बेकार, बेलाशक.

सर-लागून : सरकार, सराद, सरदार, सरकारकून, सरचिटणीस. (केन्ना केन्ना कोकणींत ताजें शिर जाता. देखीक : शिरपेंच, शिरजोर).

## कृदन्तां आनी तद्धितां

कृदन्तां आनी तद्धितां मूळ उतरांक प्रत्यय लागून जातात. कोकणींतले प्रत्यय केन्ना तिजे निजाचे आसतात तर केन्ना संस्कृत, प्राकृत वा अन्य भासांतल्या प्रत्यया-वैल्यान जाल्ले आसात.

अ-हो प्रत्यय अकारान्त धातूंक पररुपसंधीन लागून कोकणींतलीं बरींचशीं क्रिया-वाचक नामां जातात. हालीं ताजी म्हगेर पैलींभशेन येवच ना. हातूंत ये आनी वच हीं क्रियावाचक नामां. आदळ, आपट, रड, घड, मोड, ओड, मार, धर, उकड, जोड, मर, कड हीं क्रियावाचक नामां अशींच घडल्यांत.

अकारान्त धातूंत उपान्त्य इ वा उ आसल्यार ते क्रियावाचक नामां सादताना लांबोडे जातात. देखीक : फुट-फूट, लुट-लूट, भुल-भूल, तुट-तूट, कुट-कूट, झिज-झीज, विण-वीण, रिग-रीग, पिक-पीक, पिळ-पीळ, तिग-तीग, चिर-चीर, विट-वीट, गिळ-गीळ. पुण उपान्त्य ए-ओ आसल्यार ते तशेंच उरतात. मेळ-मेळ, खेळ-खेळ, झेल-झेल, फेड-फेड, मोड-मोड, ओड-ओड, जोड-जोड, सोद-सोद, मोख-मोख उपान्त्य आ आसल्यारय तशेंच जाता. खांक-खांक, झांक-झांक, लास-लास, दाग-दाग. कांय सुवातींनीं उपान्त्य 'अ' ची वृद्धि जाता. देखीक : उतर-उतार, पड-पाड, खच-खांच.

**ओ—** कांय धातूंक हो प्रत्यय लागून नामां जातात. देखीक : वेड-वेडो, घेर-वेरो, उलगड-उलगडो, थार-थारो, भरड-भड्डो, कातर-कातरो, भुरक-भुरको, जेव-जेवो, खाव-खावो,. केन्ना ओ च्या बदला यो जाता. देखीक : खेळ-खेळयो, तेळ-तेळयो, घाळ-घाळयो, गोंदळ-गोंदळयो.

केन्ना धातूंतल्या उपान्त्य अ ची वृद्धि जाता आनी मागीर ओ लागता. देखीक : उतर-उतारो, पसर--पसारो, उमळ-उमाळो, फुग--फुगारो, तर--तारो, निवड-निवाडो.

**आय—** कांय धातूंक आय प्रत्यय लागून स्त्रीलिंगी नामां जातात. देखीक : लढाय, चडाय, थुळाय.

**आव** — हो प्रत्यय धातूंक लागून कांय नामां जातात. देखीक : चडाव, देखाव, पकाव, पाडाव, उठाव, रिगाव, शिडकाव, वाटाव.

**आट** --- हो द्विरुक्त धातूंक लागून ताचीं भाववाचक नामां जातात. देखीक : चकचकाट, लखलखाट, थमथमाट, तरतराट, सुळसुळाट वगैरे.

**आडो-आडी** प्रत्यय लागून कांय भाववाचक नामां जातात. देखीक : नासाडी, चुराडो.

**आरो** प्रत्यय लागून कांय क्रियावाचक नामां जातात. देखीक : उचारो, ओंकारो, फुगारो.

**आरी** प्रत्यय धातूंक लागून कर्तृवाचक नामां जातात. देखीक पुजारी, गिंजारी, मापारी, रंगारी.

**ई** किंवा **को** हो प्रत्यय बऱ्याचशा आकारान्त धातूंक लागून ईकारान्त स्त्रीलिंगी नामां जातात. देखीक : चोरी, उडी, उडकी, बुडी, दडी, थुकी, थापी, कडी.

**इक** हो प्रत्यय लागून कर्तृवाचक विशेषणां जातात. देखीक : खर्चीक, सोशीक, त्रासीक, सडीक, पढीक, रुचीक.

**ईत** प्रत्यय धातूंक लागून कृदन्त विशेषणां जातात. देखीक : लखलखीत, झगझगीत, घळघळीत, तिकतिकीत, लवलवीत. हे असले अनुप्रासिक धातू कोकणींत विपुल आसात. असले धातू आनी तांचेपसून जाल्लीं नामां वा विशेशणां हीं भाशेंतलीं खरेलीं जिवीं तट्टित उतरां. तांच्या वाफराकडेन आमच्या बरप्यांचें विशेश लक्ष आसूंक जाय अशें म्हाका दिसता. गडगडो, खतखतो, हुटहुटे, फडफडे, किटकिटे, मिडमिडे, चुरचुरे, हुडहुडो, थरथरो, कडकडो, लडलडो, खतखतें, हुलहुले, भिरभिरी, गळगळे, घरघर, धडधडो, फुतफूत, हुसहूस, कलकलो, मचमच अशीं नामां घडटात. तर वसवसो, हुतहुतो, तिटतिटी, तिकतिकीत, लवलवीत, कवकवीत, रसरशीत, झिरझिरीत, चरचरीत अशीं विशेशणां जातात.



**ईत** हो प्रत्यय मूळ धातूक लागून हीं विशेशणां जाल्यांत हें तुमच्या लक्षांत आयलांच जातलें. बुडीत, पडीत सारकीं विशेषणां आनी लिखित, भाकीत असलीं नामां असो ईत प्रत्यय लागूनच जाल्यांत.

**ऊन कि न** प्रत्यय लागून क्रियाविशेशण अव्ययां जातात. देखीक : करून, बचून, खावन, जेवन, म्हणून, देखून दाटून हीं क्रियाविशेशणां अशींच जाल्यांत. केन्ना केन्ना ह्या न चें ण जाता. हांतरुण, पांगरुण हीं नामां अशीं जाल्यांत.

**ए** वा **ओ** प्रत्यय लागून रडें, हांशें, नाशें, लाशें, अदमुरें, म्हेळें आनीक ओतो, तेंको, सांठो, लाळघोटो, बोटचेपो, पिको, सुको, अशीं नामां आनी विशेशणां जातात.

**को** प्रत्यय लागून कसको, कुसको, धांसको, पोसको, तुटको, हेडको, मोडको अशीं विशेशणां जातात.

**गो** प्रत्यय लागून नाडगो, बाटगो, नावाडगो.

**ट, टी ठो ड** वा **डो** प्रत्यय लागून नामां वा विशेशणां जातात. देखीक : पुसट, पसरट, करपट, थापट, लागट, कापटी, आपटी, पुरवठो, निसरड, भरड, निसड्डो, कुसडो.

**ण** प्रत्यय लागून देखीक : केळवण, रुजवण, भिजवण, सारवण, मेळावण, जिरवण, अडचण, विरजण, न्हेसण, लिपण, वळण, लोळण, शिवण, धांकण.

**णें** लागून देणें, घेणें, सुकौणें, दवरणें, धरणें.

**णूक** लागून घडणूक, वागणूक, पिडणूक, लागणूक, रचणूक, सोडवणुक, निवडणूक.

**णो** लागून जावपी उतरां. देखीक : जळवणो, नागवणो, सुखदिणो, कूसधुणो, भरणो, इत्यादि.

**पी** प्रत्यय लागून जावपी उतरां. देखीक : रांदपी, वाढपी, शिंवपी, खावपी, जेवपी, पेटोवपी, पालवपी इत्यादि.

**णी** प्रत्यय लावन स्त्रीलिंगी नामां आनी विशेशणां जातात. देखीक : करणी, मोडणी, मांडणी, वांटणी, नडणी, वेणणी, मळणी, वेतणी, घरभरवणी, किसर्णी, किरमणी, जळवणी, फोडणी, इत्यादि.

**णार** प्रत्यय लावन राखणार, पोसणार, पाळणार, कर्तो ह्या अर्थाचीं विशेशणां जातात.

**णारो** प्रत्यय लावनय खाणारो, जेवणारो, बरयणारो अशींय त्याच तरेची विशेशणां जातात.

**साण वा टाण** प्रत्यय लागून जाल्ल्या नामाचे नमुने : भेलसुटाण, करपुसाण.

**णें** प्रत्यय लावन क्रिया दाखौपी नामां जातात. देखीक : उलवणें, आपोवणें, पेटणें, गाळणें, लाटणें, कानकोरणें, कांतणें वा कांतनें इत्यादि.

**तो ( ती तें )** हो प्रत्यय लावन कर्तृवाचक विशेशणां जातात. देखीक : दितो, घेतो, खातो, पितो, न्हाती, धुती, दुभती [गाय], भोंवती (भागरत) नंदतें-गाजतें [घर] इत्यादि.

**ल्लो ( ल्ली ल्लें )** प्रत्यय लावनय विशेशणां जावं येतात. देखीक : दिल्लें (घर) जाल्लें (घर) जेविल्लें (पान) तळिल्लें (नुस्तें) सांगिल्ली (खबर) थाराइल्ली (वेळ) मांळिल्लो ( वळसर) पुरिल्लो (ऐवज) इत्यादि.

**ती** प्रत्यय लागून नामां जातात. देखीक : गळती, झडती, भरती, वढती, सुकती.

**तें** प्रत्यय लागूनय नामां जातात. देखीक : भरतें, दुभतें, चरतें.

**पट्टी** प्रत्यय लागून नामां जातात. नमुन्याक : खरडपट्टी, भादरपट्टी, उधळपट्टी, तासंपट्टी इत्यादि.

**रो ( री रें )** प्रत्यय लागून जावपी विशेशणांचे आनी नामांचे नमुने : खायरो, ओंकारो, खांकरि [बाय], मुतरी [मुतपाची सुवात], नाचरें, कांपरें.

**आं** हो प्रत्यय धातूंक लागून क्रियाविशेशणां जातात. देखीक : तो धांवतां धांवतां पडलो. उठतां मार बसतां बुकी. हीं क्रियाविशेशणां, केन्ना केन्ना आं जाग्यार ना होय प्रत्यय लागता. देखीक : धांवताना, उठताना, बसताना इत्यादि.

**ऊंक** प्रत्यय लावन कृदन्तां जातात. देखीक : ताका जेवंक वाडलो, ताका खावंक घालें. हांगा जेवंक, खावंक हीं नामां, तर तो जेवंक गेला. तो उलैल्यार खावंक येता. हांगा जेवंक खावंक हीं क्रियापदाक पालव दिवपी कृदन्तां.



कोंकणींतल्या धातूंचीं भाशेचें अर्थगौरव वाडौपाचे नदरेन दोन रुपां तोखणाय करिसारकीं आसात. एक प्रकार असो कीं तो तिरुक्ति करून येता. देखीक : पेटेन्नाव झांक झांक झांकता, कुस्कुटहोनी धू धू धुता. दुसरो प्रकार धातूपसून प्रयोजक धातू जावप. देखीक : भियेता–भेश्टायता, चलता–चलयता, धांवता–धांवडायता, देखता–दाखयता, सरता–सारता, फुलता–फुलयता. कोंकणी धातूंची आनी एक गंमत आसा. ती म्हळ्यार एकच धातू सकर्मक आनी अकर्मक चलूंक शकता. देखीक : तिणें भुरग्याक हाण्डीर धल्लां, बोंसाळेंर निकतेंच फूल धल्लां, तो सावजां मारतां, ताका मावळ्याचें मारता.

आतां कोंकणींत तद्धितां कशीं तयार जातात तीं पळौया. नामांपसून धातू जावप हें कोंकणीचें एक सुमाराभायलें बळगें. असो धातू हेरां बर्गांतल्या उतरांपसूनय जातात.

**नामधातू** : बाज–बाजेवप, हात–हाताळप–हातवासप, घाण–घाणप–घाणावप, परमळ–परमळप, मूय–मुयेवप, पिडा–पिडप, गाज–गाजवप, खोंट–खोंटावप, पोट–पोटलप, थापट-थापटावप, मोल–मोलावप, पानो-पानेवप, तान-तानेवप, आस–आशेवप, धाप-धापेवप, खत-खतावप, कश्ट-कश्टावप, सांठो-सांठावप, गांठ-गांठावप, उश्टें- उश्टावप, सूख-सुखावप, दुःख-दुखावप, धुमको धुमकावप, लोड-लोडेवप, गोठो-गोठेवप. घोळको-घोळकावप, सूर-सुरेवप, फट-फटवप, कायलाथो-कायलावप (हातूंत वर्णविपर्यय जाला ) भियेवप-भेश्टावप इत्यादि.

**गुणविशेशण-धातू—** उणें-उणावप, पिसो-पिसावप, भेरो-भेरावप, पोंवट–पोंवशेवप, खंवट-खंवटेवप, आंवट-आंवशेवप, वास्कळ-वासप, विस्कळ-विस्कप–विस्कळावप, तामडो–तामडावप, निवळ–निवळावप, पातळ-पातळावप, रुंद–रुंदावप, लांब-लांबवप इत्यादि.

**संख्या विशेशण धातू—** एक-एकावप (दादलो मनीस घरा नाशिल्ल्यान ताका एकवल्ल्यावरि जालें). दोन किंवा दों पसून दोंस–धोंस आनी ताजेपसून धोंसप हो धातु जाला. दो चे इ जावन दुणावप असोय धातु जाता. भुरगें चौथ्या वर्सार चौखुळटा आनी सव्या वर्सार सटकुळटा—ह्या वाक्यांत चौखुळप, सटकुळप हे धातु चार आनी स ह्या संख्याविशेशणांवेल्यान आयल्यात.

कोंकणींत सर्वनामांचीं क्रियापदां वा धातू जायनात. पुण हिंदींत आप पसून अपनाना जाता त्या धर्तीर रवींद्रबाब केळेकरानी आपुण ह्या सर्वनामावेल्यान आपणावप हो धातू प्रचारांत हाडला आनी आतां तो बेस बरो रुळला.

क्रियाविशेशणांपसून धातु जायनात. एकच अपवाद आसा तो म्हळ्यार पैस पसून पैसावप हो.

काय सामान्य नामांपसून दुसरीं नवीं सामान्य नामां जातात. देखीक— चाल–चलणूक, म्हाल–म्हालमतो·म्हालवज, शेळ–शेळाव, खुंटी–खुंटो·खुंटयाळें, मुख-मुखें, मुह·म्होवें, घडण-घडणावळ, खाण-खाणावळ, जेवण-जेवणावळ, दिवो-दिवज, दिवली–दिवाळी·दिवाळें, खाड·खाडकी, चोळी-चोळो, दोरी-दोरो, पान-पानको, घर-घरकार·घराणें, रुख–रुखो-रुखावळ–मूळ·मुळी·मुळावण, ताळ–ताळी ताळू ताळो, शीं–शियेल·शियाळें, रुख–रुखो-रुखावळ–रुखावत, पीक–पिकावळ, पील–पिलावळ, अभ्र–अभ्रो, खाज–खाजें, पांटें–पांटली·पांटुलो, गांठ–गांठी·गांठवल, आग–आगटें·आगुळें, देव–देवता·देऊळ·देवळी, माथें–माथोटी-माटोळी, रूप–रूपकार·रुपडें इत्यादि.

नामांचीं भाववाचक नामांय जातात. देखीक : मनीस–मनीसपण·माणुसकी, इष्ट–इष्टागत, सोयरो–सोरगत, किल्ल–किल्लसाण, दर्भ–दर्बटाण, नरक–नर्कटाण, देव–देवस्की, चोर–चोरी, खोत–खोती, वाणी–वाणपण, रूप–रुपकाय, पिसो·पिसाय इत्यादि.

नामांपसून विशेशणांय जातात. देखीक : मुख·काळमुखो, खाड-खाडयो, गांव–गांवगरो, पालव-पालवी (देवता), नांव–नावाडगो-नावाजतो, शिरी-शिरवंत, वखद-वखदी, पिशें-पिसो, बुरो-बुरसो, पोजड-पोजडो, बूर-बूरयो, जीव-जिब्रट, जीव-जिवस, रूप-रूपस–रूपेस्त, मूळ-मुळावो, थळ·थळावो, लाड-लाडको, मसण-मसणो, घात-घातकी, पातक–पातकी इत्यादि.

नामांपसून क्रियाविशेशणांय जातात : देखीक— मुख–मुखार-सामकार, फाट-फाटीं, फुडो-फुडें, वेग–वेगीं-वेगीं, नाख-नाखयां, पोट-पोटयां,- दोळो-दोळयां, दिमी-दिमखुऱ्यां, पोंद पोंदयां, जोडें-जोडयान, किंवाटो-किंवाट्यान इत्यादि.

नामांपसून जशीं विशेशणां आनी क्रियाविशेशणां जातात तशींच विशेशणांपसून नामां आनी क्रियाविशेशणां जातात. अशीं कांय विशेशण–साधित नामां : लांब-लांबी–लांबाय, रुंद-रुंदी-रुंदाय, दाट-दाटी-दाटाय, खार-खारवी-खारसाण, गोरो-गोरपाण, तामडो–तामसाण, आमट-आमटाण, पिसो-पिसाय, घट-घटाय, भलो-भलायकी, लायक-लायकी, सुको-सुकेंड, ओलो-ओल, अपूर्व-अपुर्वाय, अप्रूप-अप्रुताय, व्हड-व्हडविकाय, ल्हान–ल्हानविकाय, खोल-खोलाय, एक·एकी-एकचार-एकवट, दोन-धोंस-दूण, वीस·विशी, साठ–साठी, साडेसात-साडेसाती इत्यादि.

विशेशणांपसून क्रियाविशेशणां जातात ताजे नमुने : मोनो-मोन्यांनीं, ओगो–



ओगीच, मोटो-मोठ्यान, चार (चौ)-चोंशीं, तीन·तिशीं [वांटले], दोन-दोशीं [दोन भाव दोंशीं जाले] इत्यादि.

व्याकरणांतल्या एके जातीच्या उतरापसून दुसरे जातीचें उतर घडटना ताजेर कांय संस्कार जातात आनी ताका कांय प्रत्यय लागतात हें आतां इतलीं उतरां आयकतकच तुमच्या लक्षांत आयलांच जातलें.

आतां धातुभायऱ्या उतरांक खैंचे प्रत्यय लागून कसलीं कसलीं उतरां जातात तें पळौंया.

**ऑ**— लागून पिशें-पिसो, पाट-पाटो, वंश-वांसो, दोर-दोरो, आड-आडो, उतार–उतारो, वाद्य-वाजो इत्यादि.

**ई**— लागून घांट-घांटी, तार-तारी, आड-आडी, कोश्ट-कोठी, मंच-माची, शट्–सटी, मठ-मठी इत्यादि.

**एँ** लागून. खार-खारें, सार-सारें, पीठ-पिठें, वद्य–वजें, खाद्य–खाजें, गिर–बूज हांचेपसून गिरबूजें [गिर्रे करून फिरता आनी बुजता तें म्हळ्यार चिमणी], शकुंत–शेवणें, खतखतो-खतखतें इत्यादि.

**आं**— लागून. फालें-फाल्यां, पैर-परां, नाख–नाखयां, भितर–भितर्यां, दोंगर-दोंगर्यां, पोंद्–पोंदयां, दिमखुरी-दिमखुऱ्यां, दोळो–दोळयां, गळो–गळयां, पोट-पोटयां इत्यादि.

**आय**— लागून. थंड-थंडाय, चतुर-चत्राय, नवल-नवलाय, बारीक–बारकाय, चंड–चंढाय, पिसो–पिसाय. न+सह पसून नसाय, वर्म–विरमाय, विस्मरण–विसराय, अखट्टी–अखटाय, लांब–लांबाय, दाट–दाटाय इत्यादि.

**आयत** – लागून. बाग–बागायत, कबूल–कबलायत, सरांव–सरांयत, त्रय–तिरायत, नवो-नवायत इत्यादि.

**आव**— लागून. ऊठ–उठाव, घंट–घंटाव, वटवप-वाटाव, थार–थाराव, पिकार-पिकाव, मेळप-मेळाव.

**आट**–लागून. सकल–सकलाट, ऊंच-उंचाट, लखलख-लखलखाट, रखरख–रखरखाट, इ.

**आंट**—लागून. गोल–गोलांट, खोल–खोलांट इ.

**ड**—लागून. गर्ज–गरड, बात–बातड, बाधा–बाजड, रेबो–रेबड, खत–खातड इ.

**आडो**—लागून. धवो–धवाडो, चुरो–चुराडो, सुर–सुराडो, बाट–बाटाडो, शैत्य–शिताडो, घेर–गराडो, इ.

**टो**—लागून. घांस–घांसटो, घसटप–घस्टो, ल्हेंबप–ल्हेंबटो, चाम–चामटो (चामडी दीत पुण दमडी दिवचो ना असो) नावटो (नल्याक दुदाचो नावटो पडला) नकटो, धाकटो, हिमटो वगैरे.

**वो**—लावन. अणवो, आठवो, कारवो, तळवो, पारवो, पाडवो, सोरवो, मोटवो, नाठवो, पेडवो, गोडवो, उजवो, आडवो इत्यादि.

**यो**—लावन. तडयो, लाळयो, साळयो, भाणयो, म्हादळयो, खाडयो, निखाडयो, धाणयो (वाग), नाखयो इ.

**आळ**—लावन. मोगाळ, म्होवाळ, मोवाळ, रसाळ, रवाळ, नवाळ, बोवाळ, चुनाळ, घडियाळ, घंगाळ, ल्हंवाळ, मासाळ, पिकाळ, गोंडाळ, उबाळ, उदकाळ इ.

**एस्त**—लागून. मायेस्त, दयेस्त, भौमानेस्त, भागेस्त, दुखेस्त, काकुळटेस्त, गिरेस्त, रूपेस्त इत्यादि.

**आळो, वाळो, आळी, आळें**—लागून. खिणयाळो, खोडयाळो, खोरजुवाळो, लेकुरवाळो, कोडयाळो, चाडयाळो, माथाळो, सुवाळो, धुवाळो, जिवाळो, दिवाळी, आंदाळीगुंदाळी, सरवळी, शिरवळी, दिवाळें, कोंडाळें, खुंटयाळें.

**को**—लावन. हावको, पेटको, रोटको, पाडको, आटको, अमको, तमको, चुळको, चुरको, भुरको, शेलको, पटको इ.

**की**—लावन. परकी आरकी, शिंदळकी, म्हारकी, मास्तरकी, माणसुकी, भुताटकी, बलायकी, फुशारकी, इ.

**वळ**—लावन. पानवळ, अरवळ, घडवळ, इत्यादि.

**वल**—लावन. आटवल, आडवल, गांठवल, इत्यादि.



**आवळ**—लावन. घडणावळ, मोडावळ, खाणावळ, जेवणावळ, पिलावळ, भुरावळ, छापणावळ, उश्टावळ, वंशावळ, बरपावळ इ.

**खत**—लावन. संस्कृत हत हाजें हें कोंकणी रूप; अवसानखत, अब्रूखत, कर्तुत्वखत, चरित्रखत इ.

**वत**—लावन. संस्कृत मत्ता ह्या प्रत्ययाचें हें कोंकणी रूप जावये. ज्या द्रव्यापसून तरेक तरांचे जिनस केल्ले आसतात, ज्याणें ते केल्ले आसतात किंवा जें ते केल्ले आसतात त्या उतराक 'वत' हो प्रत्यय लागतकच त्या जिनसांच्या समुदायाचो बोध जाता. देखीक : घरवत, लाकुडवत, भांगरवत, रुपावत, लोखणवत, म्हारवत इत्यादि.

## समास विचार

**आण**—प्रत्यय लावन. देखीक : बुट्टाण, हिंवसाण, खात्साण, वड्डाण, नर्कटाण, कानुट्टाण, पोंवसाण, काळवाण इत्यादि.

**सर वा सार**—प्रत्यय लावन. देखीक : रूपस, मागूस, आंबूस, लागसार, बेगसार, दमसार, कोडसार, आमसार इत्यादि.

अशे प्रत्यय सांगतलो जाल्यार आनीकय आसात. पुण अजून कोंकणींतल्या समासांचो विचार करपाचो आशिल्ल्यान तद्धितांचेर पान परतून कोंकणीच्या समास–वैभवाचो हांव थोडेभितर निर्देश करतां.

समास म्हळ्यार उतरांचीं जोडवीं. केन्ना तीं समानार्थी आसतात, केन्ना विरोधार्थी आसतात तर केन्ना एकमेकांच्या संयोगान आगळोच अर्थ प्रगट करतात. अव्ययीभाव, तत्पुरुष, द्वंद्व आनी बहुव्रीहि अशीं तांची वर्गणां घालपाची चाल आसा. तांचेय उपप्रकार आसात. तांच्या लक्षणांप्रमाण तांची वर्गवारी करूंक गेल्यार ग्रंथ जातलो. म्हणून ते भरीक पडनासतना समानार्थी, विरोधार्थी आनी नव्यर्थी (म्हळ्यार नवोच अर्थ उक्तावपी) अशी तांची बांटणी करून तांचे कांय नमुने हांव तुमच्या मुखार दवरतां.

**समानार्थी समास**—देखीक : दुडुआडको, आखोतिखो, आयदनबियदन, उकडपकड, घरदार, चीजवस्त, शेजारीसांबारी, नातेंपातें, सरपर, दाणोगोटो, आलेभावकोलेभाव, फिरंगीफिदाल्ग, सार्टेंलोटें, सांटलींपोटलीं, भाटबेंस, माटवमेड,

तरणेंधाकटें, भेटभोंवारी, मनीसजण, आयदनलोलो, वस्त्रप्रावर्ण, जेवपीखावपी, न्हातीधुती, जोरजाळ, खांकशीक, थोंथरचिंथर, आंगटीफाळी, काळवेळ, तीथपरब, अर्थअपुर्बाय, घाडीभगत, भूतखेत, लग्नकारण, शीमसर्त, वळखदेख, म्हातारोधोणारो, तांतीपिलो, वयपिराय, साडेविडे, करेगाडगे, पोळीपीठ, सारें-उदक, आळेपिळे, सवेलाय, कामकाज, भुतांखेतां, आंगवण-जोगवण, कांचींबुर्चीं आव्यापेंन्यान, कानकानसुल, थावथिकार, मुवाळेधुवाळे.

**विरोधार्थी समास**— देखीक : मुखीदुखी, बरेंवाइट्ळ, खरेंखोटें, सुयेर सुतक, ताळमूळ, आयलोपेलो, येतोवतो, योवच, हाडव्हर, आक्षणवाक्षण, दीसरात, सकाळसांज, हातपाय, जाण्टोनेण्टो, आयव्यय, लस्टभस्ट, सवलेंओवलें, इत्यादि.

ह्या दोनय प्रकारांतलीं दोनय पदां केन्ना समानार्थी आनी केन्ना विरोधार्थी आसलीं तरी तांतल्यान अर्थाची नवी कळा प्रगट जाताच, म्हणून तर ते घडल्यात. पुण उभय पदांतल्या अर्थापरस सामकोच वेगळो अर्थ दाखवपी जायते समास कोंकणींत आसात. तांकां हावें मुजरतच नव्यर्थी समास म्हळां.

**नव्यर्थी समास**— देखीक— सायबाजात्रा, धर्मजागो, नाकाशेवट, समक्ष-अपरोक्ष, घरोनघर, दारोनदार, नखसूद, कपाळफोडणी, तांडपाठ, तांडालावणें, गर्भगळीत, गर्भश्रीमंत, खखंतकांठी, कंगरकीस, आंवळकाठी, काबुळ-गोत्र, घरजांवय, वस्त्रगाळ, बांटेकारी, जमनीभरवण, मर्तमोड, रडतरावत, पंचफळें, थानपटी, साकरबडी, दग्धहस्त, गलितगात्र, बामणबुद्द, सोडमूज, निसरगांठ, पडजीव, पडविंव, सोडचीट, सोडवाट, बुदबळ, तारांबळ, कूंसलायणो, कळिनारद, कळलायणो, कुसधुणो, आकासदिवो, वार्याणिवळ, शिल्लुकउपद्रव, साळवानशेक, भटचुकोय, चामारगोंदें, तिरपनथिगळी, विजापात्र, गोमनाणें, कामारशेत, कुमारजुवें, तिळामळ, नाडेपेन्न, आशेभगत, आशादुशी, आळशिकोडो, अखितय, खामसुत्रें, मळसूद, गिरबुजें, चवाय, उत्पन्नभक्षी, त्रिलेवाट, वादाविसुळ, दुदभाव, मावशेभैण, मागीलदार, पाटांगडो, मोराविलाथ, भिकारभासो, पोटफुगें, म्होंवामूस, सुनमुख, खडलांकूड, आसनमांडी, दोडोमार्ग, रायरस्तो, राजांवळो, रातांधळो, आषाढपांवळी, गुळागणेस, गोडावेली, होंवळीकपत्र, चाळीसपत्र, मोनजात, मातुळबड, माकडहाड, काश्मीरपापाण, बेकारचावडी, भालदारकाठी, अष्टिदेक, कर्मभोग, अमुरपिको, हांतर-पटो, अंतरपाट, नाककातरो, शिरफुटो इत्यादि.

ह्या भायर कोंकणी मनशाक कितेंय सांगताना तें खुलौन नटोवन म्हळ्यार अति-शयोक्ति अलंकार वापरल्यावगर सू दिसना. देखीक : काळेंकिट्ट, गोरोपिट्ट, तीखउजो,



आंबटपचरोणी, कोडुविख्ख, धवेंफुल, थंडकिरंव, तांबडेंगुंज, गोडअमृत.

घरांत हाडिल्ल्या नुस्त्याची वा शाक भाजयेची खबर सांगताना केन्नां अर्थीन तर केन्ना दुसऱ्याचो एकाद्रो रेंच जायत म्हणून तो तांची जणेक पत ल्हान करून सांगता. देखीक : शेंवस्र्याचो किलांगो, चणकाची बांगडी, विस्वणाचो कळावो, खरचेचो तोपो, मुडुशेचो खिळो, सुंगटाची किरप, काळीचो गिरबो, तामशाचो फेरो, कुल्लेचें त्वीप, कलेचो बाळो, रांवशीचो पेटो, इत्यादि.

फळ-भाजये संबंधानय अशेंच. देखीक : पेराचो कांकाडो, काळंगाचो धोंडो, घोसाळ्या निरप, तवशाचें पिपर, वांयग्याची बोड्डी, आंब्याचें तोर, नाल्लाचो बोंडो, दुदयाचो तोरो, केळ्याची वात, इत्यादि.

येथवर कोंकणी उतरावळीची घडणूक, जोडणूक आनी वेलबिस्तार कसो जाता हाजी कल्पना तुमकां आयल्या जातली. तांतल्यान तिजे नेम आनी धर्म वळखले जाल्यार वेव्हार आनी मनाचो व्यापार हांच्या गरजेप्रमाण जाय जाल्लीं उतरां आमच्यानीं सहज कोमावन आनी किल्लावन काडूंक जातात. मात कोंकणीचेर तेदी भक्ति जाय, ध्यास अभ्यास जाय आनी त्यायपरस विशेश म्हळ्यार प्रतिभा जाय. उतरावळ हे भाशेचें एक व्हड बळगें. पुण त्यायपरस व्हडलें बळगें म्हळ्यार, आशिल्ल्या उतरांक अभिधेचे जोड-येक लक्षणा आनी व्यंजना दिवपाची तिजी तांक. ही तांक कोंकणीक विपुल आसा. आनी ती भाशेंत घोळटिकेंत आशिल्ल्या वाक्प्रयोगांत घे म्हणून पळोंक मेळटा. दुर्दैवाची गजाल ही कीं तांचो वापर करपाची प्रवृत्ति शिक्षितांत दिशिंदिशीं उणी जायत वता. खरें म्हळ्यार भाशेची खरेली जिवसाण ह्या वाक्प्रयोगांत आसता. तरेक तरांचे शब्दालंकार आनी अर्थालंकार घेवन ते आयिल्ले आसतात. लोकान उपजत प्रतिभेन गद्यांत जल्माक घाल्लें अस्सल काव्यच तें. असल्या ध्वन्यर्थ समृद्ध वाणीक रुशीनीं छांदस वाणी म्हळां. युरोपी भासांत तांकां Idioms म्हण्टात. आनी Idiom हें उतर भास ह्या अर्थान वापरतात इतलें तांचें म्हत्व. ह्या वाक्प्रयोगांत उपकरायल्ल्या उतरांच्या वाच्यार्थापरस सामको निराळो असो अर्थ तीं एकठांय आयिल्ल्यान निर्माण जाता. देखीक : ताजे हात म्हज्या पोटांत गेल्यात. तो माथ्यार हात घेवन बसला. तो हात पांगरून बसला. त्या सोयान तिज्या आंगार हात घालो. ताणे जेवणार असुदाय हात माल्लो. चलेबाव कसलीय खबर सांगताना सामके हातावेले पारवे करता. ती वाडोळ चली वाटेवेल्याचो हात धरून गेली. मुदलचो तो हातान लागें पुण हालीं ताजे हात मोटवे जाल्यात. ताणें सामके दोळ्यांर हात काडले. ताणे कानार हात दवले. इत्यादि.

केवळ हात ह्या एका उतराच्या वापरान कितले वेगवेगळे अर्थ हांगा प्रगट

जाल्यात ते बरे करून तेन्ना ताजें जाल्यार भाशेंतले वाक्प्रयोग उण्यांतउण्या उतरांत चडांत चड आशय कसो सांगतात हें तुमच्या लक्षांत येतलें. म्हजें आमगेल्या बरपी भांवणांकडेन मागणें कीं कोंकणी वाक्प्रयोगांची ही तांक ताणीं वळखुची आनी आपणाले प्रतिभेन ती वाडोवची.

जो विशय ह्या दोन भाशणांनीं म्हाका हाताळचो पडलो तो मुदलांतच गडखळ आनी गिरवडीचो. ताजे खरीक हात घालतलो जाल्यार एक सबंद हयात पावची ना. पुण कोंकणीच्या मोगाक आनी भक्तीक लागून अवघ्या एका म्हैन्याच्या अवधींत म्हाका तो संपादचो पडलो. उतरांच्या व्यंजनेसंबंदान खूब सांगचेले आशिल्लें. पुण आतां तितलो उसव ना. देवान बरें केल्यार फुडें केन्नाय तें सांगूं येत. ह्या भाशणांतल्या त्रुटींची जाण म्हाका आसा. पुण वेळचे अभावीं म्हजो निरुपाय आशिल्लो. ह्या विशयाचो थाव घेतना म्हाका खूब त्रास जालो पुण तांतलीं रत्नां हाताक लागतकच सुमाराभायर आनंदय जालो. ह्या भाशणाचें स्रय कोंकणी भाशा मंडळाच्या यजमान्याचें. अपस्रय आसल्यार तें म्हजें. ह्या निमित्तान शणै गोंयबाबांची आनी कोंकणीची सेवा म्हजे हस्तकीं थोडी जायना घडली ही म्हजी धन्यताय. विशय शास्त्रीय, सुको आनी विळख्याचो अशें आसून थंडसाणेन आनी एकचित तुमी तो आयकून घेतलो ह्या खातीर हांव तुमचो उपकारीक आसां.

— बाकी बोरकार

उजवाडावपी :
चंद्रकांत केणी,
अध्यक्ष,
कोंकणी भाशा मंडळ,
मडगांव - गोंय.

●

पयली खेप
९ एप्रिल १९७३
(कोंकणी दीस)

●

**मोलः १ रुपया**

●

छापपी :
नरेंद्र नारायण नायक,
काझ गोमन्तक,
मडगांव - गोंय.